
चैतन्याच्यो पावळ्यो

संजीव वेरेंकार



चैतन्याच्यो पावल्यो

चैतन्याच्यो पावळ्यो

संजीव वेरेंकार

स्नेह प्रकाशन

चैतन्याच्यो पावल्यो

संजीव वेरेंकार

Chaitanyachyo Pavlyo
by Sanjiv Verenkar

प्रकाशक

वैभव वेरेंकार

स्नेह प्रकाशन

सावयवेरें, फोंडें -गोंय

छापपी

राजहंस प्रिन्टिंग प्रेस

कोल्हापूर

प्रकाशन क्र. : 10

पयली उजवाडावणी

ऑगस्ट 2009

मुखचित्र


शंकर रेगे

अक्षर जुळवणी

जय नायक

मोल : 150 /- रु.





कोयणे बाल, गड्डे आनी कॅरमाच्या नादाक लागून शिक्षणाक चुट्टी लावपाचे वाकडे वाटेर आसतना योग्य वेळार म्हाका समेर हाडलो आनी जीविताक वेगळेंच मोडण दिवपाचें काम केलें. ते म्हजे तेन्नाचे उत्कर्ष विद्यालयांतले शिक्षक माधव सोमण हांकां ह्यो 'चैतन्याच्यो पावळ्यो' ओंपताना म्हाका खोस भोगता.

। संजीव





काव्य सरस्पतीच्या आंगणांत प्रवेश करून सुमार 30 वर्सांचो काळ सोंपला. वाचप्यांनी आनी आयकुप्यांनी दिल्ल्या प्रतिसादाक लागून आतांमेरेन हांव कवितेची प्रामाणीकपणान सेवा करीत आसा. ह्या काळांत साबार जाणानी तोखणाय आनी मार्गदर्शन केलां. तांच्या हांव सदांच रिणांत आसा. त्या सगळ्यांची नांवां सांगप शक्य ना. पूण ज्येश्ठ कवी माधवबाब बोरकार हांचें नांव घेतले बगर म्हज्यो ह्यो 'चैतन्याच्यो पावल्यो' पूर्ण जावंकच शकनात. तांणी म्हजे कवितेक सदांच दाद दिल्या. अत्यंत नितळ काळजाच्या ह्या कवीन दिल्ली दाद हो म्हजो गौरव अशें हांव मानत आयलां.

ज्या वाठारांत हांव जल्माक आयलो तो अंत्रूज म्हालांतलो मांडवीचे देगेर आशिल्लो सावयवेरें गांव. लेखकांचो, कलाकारांचो सैमसुंदर गांव. थंयचो कष्टकरी मनीस, वातावरण आनी थंयचे मातयेचे सासायेंतल्यानच म्हजी कविता घडल्या.

कोंकणी कवितेच्या इतिहासांत म्हजे कवितेचें स्थान कितें तें हांव नकळो. पूण कवितेन म्हाका आनंद दिला. व्यक्त जावपाचें माध्यम दिलां. आनी समाजांत उबें रावपाचें बळगें दिलां. आतां मेरेन 'भावझुंबर', 'मुंबर', 'गांवांतली सांज', 'पडवेवयलीं संवणी' हे कविता संग्रह जाल्यार 'मांड ओसाड जातना', 'तिपय' हे एकांकी संग्रह उजवाडाक आयल्यात. 'गांवांतली सांज' ह्या कविता संग्रहान वर्साभितर दुसरी आवृत्ती उजवाडावपाची संद म्हाका दिली जाल्यार 'पडवेवयलीं संवणी' ह्या बालकविता संग्रहान खपाचे नदरेन क्रांतीच केली अशें हांव म्हणन, वर्सभरांत ह्या पुस्तकाच्यो हावें साडेचार हजार प्रती खपयल्यात हाचो म्हाका आनंद आसा.


पत्रकारितेच्या व्यवसायांतले म्हजे पयले गुरू नामनेचे कथाकार आनी ज्येश्ठ पत्रकार भौ. स. चंद्रकांतबाब केणी. ते सदांच सांगताले, कोंकणी साहित्याच्यो 'कॅसेटी' काडल्यो जाल्यार लिपिभेदाच्यो सगळ्यो वणटी मोडून साहित्य सगळ्या समाजामदीं पावतलें. तांचो हो विचार म्हज्या मनांत घर करून रावलो. उपरांत ह्या विचाराक संद मेळटा तेन्ना तेन्ना सारें घालपाचें काम म्हजे इश्ट आनी प्रुडंट मिडियाचे मुखेल संपादक संदेश प्रभुदेसाय हांणी केलें. ताका प्रतिसाद म्हणूनच डॉ. सोनिया सिरसाट हांच्या सहकार्यान कोंकणी कवितेच्या मळावयली 'मनपाखां' ही पयली ऑडियो सिडी प्रकाशीत करपाची संद हावें घेतली. ताका येवकारय बरो मेळ्ळो. ह्या योगदानाचो म्हाका सदांच अभिमान दिसला.

हावें कविता बरोवंक आरंभ केलो तो 1977 - 78 चो काळ. तेन्नाच्या उत्कर्ष





विद्यालयांत (आयचें कृष्णा रघुनाथ शेट्यो सावयकार) शिकताना म्हजो इश्ट उदय म्हांबरो कविता बरोवन राष्ट्रीय सणाक सादर करतालो. ताचो वसो म्हाकाय लागलो. ह्या वेळार मुख्याध्यापक रामराव कुंकळ्ळकार आनी तांची घरकान्न मेघना (शिक्षिका) हांचें मार्गदर्शन लाभलें. त्याच काळार आमचे गांवचे नामनेचे ज्येश्ठ मराठी -कोंकणी साहित्यीक प्रो. स. लक्ष्मणराव सरदेसाय हांचें गांवांत यो -वच आसतालें. आमी दोगूय तांकां मेळ्ळे. आमी बरयतात हें आयकून तांकां जी खोस जाली ती वेगळीच. तांणी आमकां प्रख्यात नाटककार पुंडलीक नायक हांची तोंडभरून तोखणाय केली. उपरांत एक दीस उदयान आनी हांवें सावय तांच्या घरा वचून तांचीय भेट घेतली. पुंडलीक बाबाचें नांव आमी आकाशवाणीचेर आयकताले. ते भेटेसावन आमचें तांगेर यो वच सुरू जालें. आनी एक साहित्यीक वातावरण निर्माण जालें. इतले मजगतच्या काळांत कवी प्रकाश दत्ताराम नायक, अशोक शिलकार, सुरेंद्र वळवयकार, सज्जन तारी, डॉ. प्रकाश शेट्ये, अवधूत न. कामत अशां कितलेशांच जाणांनी कथा, कविता बरोवंक सुरुवात केल्ली. दुर्दैवान आतां तांतले कांय जाण थांबले. पूण त्याच वातावरणांतल्यान पुंडलीक नायक, स. अरुण सिंगबाळ, तुकाराम रामा शेट, दिगंबर सिंगबाळ, भिकू बोमी नायक, उल्हास दै. रायकार हांच्या मार्गदर्शना खाला सावयच्या नारायण देवळांत वासंतीक साहित्य मेळ घडोवन हाडलो. कोंकणी राजभास चळवळीच्या संघर्शांत तर आमकां सगळ्यांकच भोगचें पडलां. त्यो यादीच वेगळ्यो. पूण म्हजे कवितेंतल्यो संवेदना सोदपी काशिनाथ नायक नांवांचो लेखक आनी शिक्षक म्हज्या वाठारांत जल्माक आयला म्हणपाचें मात म्हाका खबर नाशिल्लें. ताणें दोन वर्सां चिंतन करून अभ्यासपूर्ण अशें 'संजीवाच्या काव्यांतली संवेदनशीलता" हें पुस्तक पोरूं 2008 वर्सा उजवाडायलें. तातूंत ताणें म्हज्या 30 वर्सांच्या काळांतल्या वेंचीक अशा कवितांचो विचार केला. पूण म्हज्या आदल्या पुस्तकांच्यो प्रती आतां मेळना. देखून आदल्या आनी नव्या वेंचीक कवितांचें एक गडगंज अशें नव्या स्वरुपांतलें पुस्तक येवचें अशी ताणेंच कल्पना मांडली. तातूंतल्यानूच 'चैतन्याच्यो पावल्यो' जल्माक आयल्यो. ह्या पुस्तका खातीर अभ्यासपूर्ण अशी प्रस्तावना बरोवपी राष्ट्रीय किर्तीचे अनुवादक आनी समिक्षक प्रो. प्रकाशबाब थळी, प्रसिध्द चित्रकार शंकर सेनै, आघाडेचे छायाचित्रकार राजतीलक नायक आनी अक्षर जुळवणी करपी जय नायक हांचें हांव उपकार मानतां.



'संजीव' नी : एक आस्वादन

कवी संजीव वेरेंकार फाटल्या विसेक वर्सांच्यान म्हजो इश्ट. कवी वा लेखक जावं नाटककार म्हूण कोंकणींतलो तो म्हजे फाटलो एक दोन पिळग्यो म्हणू येता. फाटल्यानसून येवन म्हजे पिळगेचे फुडें पाविल्लो वा तशें तांकीचो कवी म्हणू येता. ज्येश्ठ बरोवप्यांक रास्त अभिमान दिसूंक फावो असो अपुरबायेचो धडपडो मनीस.

कोणेंशें म्हणलां, 'धडपडीक अंत नासता, अर्थ आसता', संजीवाचे धडपडीक हांव पळयत आयला. फाटलीं कितलीशांच वर्सा कोंकणीच्या मळार आनी समाजीक वावरांत तो सक्रीय जावन वावरत आयला.

ताची आनी म्हजी पयली वळख वा भेट नक्की खंय आनी केन्ना जाली ताची याद जायना. हांव मुंबय सोडून कायमचो 1977 त गोंयांत आयलों ते उपरांतची ही वळख. सावयवेऱ्यां एका वासंतीक साहित्य मेळांतशी दिसता.

ताणें ९0 च्या दसकाचे अखेरेक कोंकणीच्या प्रचारा खातीर पदयात्रा - सायकल यात्रा केल्यो त्या काळांत ताचें नांव चडशें कानार पडलां. उपरांत 'सुनापरान्त' सुरू जालें. तेन्ना मडगांवां पयलेंच एक वर्स हांव वृत्तसंपादक आशिल्लों तेन्ना आमी दोगांयनी वांगडा काम केलां. तेन्नाच्यान आमचे इश्टागतीचो धागो अखंडपणान घट जायत गेलो.

सातत्यान कोंकणीक निश्ठा ओंपून चड करून कवितेच्या प्रांतांत ताणें भरीव योगदान दिलां. नाटकाच्याय वाठारांत ताचे लिखणेन आपणाली तांक दाखयल्या.

एके नभोनाट्य सर्तींत संहितांचो तिगांमदलो एक परीक्षक रावपाची संद पणजी आकाशवाणीन म्हाका दिल्ली. फकत नाटकांच्यो संहिताच परिक्षकांक दितात. बरोवप्याचें नांव लेगीत नासता. एकमतान तिगांय परीक्षकांनी 'वास्तू पुरसाचो अस्त जातना' ह्या नाटक इनामा खातीर वेंचून काडलें. तें नाटक संजीवाचें ही गजाल प्रकाश थळी, विल्सन माझारेल आनी सांबप्रसाद सावकार ह्या परीक्षकांक खूब उसरां केन्ना तरी कळ्ळी. संजीव प्रामुख्यान कवितेचेर लक्ष केंद्रित करून आसलो तरी बरो नाटककार जावपाचीय ताच्यांत तांक आसा हें ताच्या एकांकीकानीय प्रयोगक्षमते सयत सिद्ध केलां.

कवी मुखेलपणान दोन तरांचे आसूं येतात, एक तर लोकाभिमुख नाजाल्यार 'वॉल्तेर-कवी' जांकां इंग्लेजींत ivory- tower poet म्हणटात, लोकाभिमुख हे कवी आयचे तंत्रज्ञान युगाचे भाशेंत सांगचें जाल्यार लोकशायेक सोबशे कवी, तांची कविता user friendly. ती लोकांतल्यान आयिल्ली, लोकांचे उमाळे, उत्फर्के उक्तावपी, लोकांखातीरची कविता, समजूक सोपी, सरळ काळजाक भिडपी.



A good poem is one which is inspired. It is also the one which inspires simultaneously [illegible] 'second hand' experienced [illegible] 'first hand' [illegible] identity [illegible]

[illegible] layers [illegible]

[illegible] "We dwell in indirections. Poerty is that permissible way of saying one thing and suggesting at least one more... we hide behind words."

थोडे कवी [illegible] नासतना बरयतात. ताणी W. B. Yeast [illegible] म्हणटा:

Poetry, like Anteus doubles its strength by the contact with the earth. आंतेवस नावाचो एक दैत्य ग्रीक पुराणांत आशिल्लो. [illegible] कारण, ताका एक वरदान आशिल्लें, [illegible]

संजीवा सारकेल्या कवीक हो मंत्र होलमला. तो [illegible] तांचेमदलोच एक जावन जियेता, वावुरता. ताच्या [illegible] खातीर धडपडटा. त्या अणभवांच्या, अनुभूतींच्या [illegible] कापोडयावरी विणीत वता.

संजीवाक कवितां खातीर विशय सोदीत भोंवचें पडना. ते ताका [illegible] जिवितांतूच पावला कणकणी मेळटात. थोडे कवी from general to particular [illegible] वागतात. थोडे from particular वा individual [illegible] general वा Universal

कडेन वतना दिश्टी पडटात. संजीव हो कवी ह्या दुसऱ्या वर्गांतलो. तो आपणाल्या वैयक्तीक अनुभूतीकडल्यान वैश्विकतायेकडेन झोपय घेतना दिश्टी पडटा.

संजीवाच्यो पन्नासेक कविता फाटीं इंग्लीशींत अणकारपाची संद मेळ्ळी. ताचो तो संग्रह इंग्लीशींत येवपाचे वाटेर आसा. तो प्रसिद्ध जातकीर ताची कविता गोंयच्या प्रादेशीक, सैमीक आयामांसयत संवसारभर पातळपाची आसा जंय इंग्लीश भास वाचतात, उलयतात आनी समजतात.

हो कवी लोकांभिमूख हें तर स्पश्टपणान जाणवता. ताच्या धडपड्या आनी क्रियाशील सभावाक लागून तो कविता बरोवनूच ओगी रावना. त्यो जाहीरपणान वाचप, छापून हाडप, पुस्तकां लोकांमेरेन पावोवप हेंवूय म्हत्वाचें कामूय तितलेच हिकमतेन करता. पूण हाचेय मुखार आनीक एक पावल मारतना सध्याच्या आधुनीक तंत्रज्ञानाचें म्हत्व मतींत घेवन 'मनपाखां' हे कोंकणी कवितेच्या मळावेले पयले वयले सीडीच्या माध्यमांतल्यान कविता लिपीभेदाच्यो वण्टी हुपून सगळ्या समाजामेरेन पावोवपाचेंय काम ताणें केलां. कोंकणीचो प्रचार - प्रसार जावपाकूय हें खूब म्हत्वाचें.

संजीव तसो आज एक प्रतिथयश आनी बरो प्रस्थापीत कवी. जनमानसांत ताका एक मानाची सुवांत आसा, ताचो असो एक वाचकवर्ग निर्माण जाला. म्हजे सारकेल्या कडल्यान समग्र कवितेचेर प्रस्तावना घेवपाची तशी गरज नाशिल्ली. कारण म्हजे इश्ट माधव बोरकार, कमलाकर म्हाळशी, काशिनाथ नायक आनी गुरूवर्य स. मनोहरराय हाणी ताचे कवितेचें त्या त्या समयार बेसबरें मूल्यमापन केल्लेंच आसा. तरीय जावन, दोतोर मनोहररायाच्या उतरांनी सांगचें जाल्यार,

'सगल्यांनी सांगून जालां
सगळें
तरीय जावन घडये,
हांव सांगीन तें,
मातशें वेगळें'

ह्याच उद्देशान संजीवाले कवितेचें आस्वादन करपाक फुडें सरलों. वयर सांगलां त्या त्या समिक्षकांनी केल्ले मोलावणेकडेन हांव पुरायेन सहमत हें आनी वेगळें सांगपाची गरज आसा अशें दिसना.

संजीव वेरेंकारान आयचें हें ताचें कोंकणीच्या मळावेलें स्थान तशें बरें तरणे पिरायेचेर मेळयलां म्हणूंक जाय. निकतोच तो पन्नाशीच्या हुंबऱ्यार पांय दवरून आसा. 'भांवझुंबर' सावन 'मुंबर' करीत करीत तो 'गांवांतली सांजे' च्या हुंबऱ्यार पावल दवरता. अशे जायते वाटचिऱ्यांचे, जैताचे हुंबरे तो हुपीत वचपाचो आसा. पत्रकार म्हुणूय तो बऱ्याच वयल्या पावंड्यार आसा.

एक सुसंस्कृत, सभ्य, उदार अंतःकरणाचो बरो मनीस हीवूय ताची म्हत्वाची वळख. बरो

कलाकार ही एक वेगळीच म्हणूनच तो आपल्याच सुरांत धांवत रावता. तशें विंगड्यांनी, ओळखुपांनी मट पायलो तो कवीक लागता. जें किते पळयलें आसा तें तो फकत पांतूर दिसता. ताका आपणाली अशी idiom लागल्या.

संजीव वेरेंकाराच्या कवितेंत भावार्थ भावनांची, वेदनेची, निसर्ग आसा, प्रेम आसा, विद्रोह वा आव्हान आसा. समाजांतल्या दुबळ्या घटकां विशीं कळकळी आसा. 'म्हजल्या नुस्त्यानी पावल्या सुन्यांक' सारकी सामाजिक जाणीव व्यक्त करपी कविता आसा.

गांवांतल्या गोड्या जिणेचें चित्रण फाटल आसा. भोंवतणच्या सगळ्या विंगड विशयांचें प्रतिबिंब आसा. कवीच्या मनांत उपजपी विचार केल्यार गांवांतली जाणीव म्हणल्यार तांचो Nostalgia आनी समाजीक भावनांचें चित्रण पाव.

पयस पयस फाटल्यान वचून उरलां तें Nostalgia तें भावार्थ, तो कवी शारांत रावता म्हूण ताचें मन 'गांवांतल्या म्हजयालाशीं' वचून पोंचून आपणाल्या गांवांत पोंवता आसता. केन्ना केन्ना भुरगेंपणाल्या यादींनी भरता. 'गावांतल्या घरा' खातीरसुवातेन आनी कोंकणी भाशेन भरलोल पडिल्ल्या शारांत दिसता. कवी कळमळटा, फाटल्या यादी कवितेंतल्यो सादू, प्रतिमा, प्रतिकां घेवन व्यक्त जातात.

कोंकणी जनलोकांचो लिखाणी आनी दुर्लभीं स्वभावालें गोड हो एक Recurring Thems संजीवाच्या कवितांनी वारंवार दिसून पडटात. समाजीक आशय, निसर्गाविशीं आदि किंवाटो हे गुणविशेस ताच्या कवितेचें झळकतात. निसर्ग आनी गांवच्या जिणेविशीं आनी निसर्गाचो आपलें नदरेप्रमाण दाखोवपाचो हो कवी प्रयत्न करीत आसता.

ग्रांयच्यान कवीक ना कसलेंच कवी. मनगतींच कवी. अस्तित्वाची तळमळ करपी हो कवी तरीय वचप म्हाका मानवता. कवी हो कवी. कवीं कविता करतात ते कविता, ताका कविवचनाचें समजूंक लागता. जाणटो जालो तरीय तांचो नदर भुरग्यांवीन उरता. सामकी सुराळें करां, तशेंच तांचें नदर हेरांपरस वेगळो. मन संवेदनशील, उतरांच्या माध्यमांतल्यान तो आपणालें भावार्थांक फाकारता, उजवाडायता.

कविता हो सर्वोच्च साहित्य प्रकार मानतात. कारण उण्यांत उण्या उतरां भितर व्हडांत व्हड आशय कविता व्यक्त करता. हेर साहित्य प्रकारांकडेन विस्तृत कॅन्व्हास आसता. कवितेक वाचपाक मेळटा थोडें कविता कानयन गवतात. तिका विशिश्ट आकार दिवप म्हत्वाचें. कवी सर्वांत बरी रचना सगळें गाता, सामकें सैमीक तरेन.

संजीव मावयवेरेंचो. सावय, वळवय, केरी, माशेल हे अंत्रुजेंतले गांव. कोणे म्हणल्यार कुळार अंत्रूज म्हाल कलाकारांचो कणदार. पिकाळ वाठार. मावयवेरें हो गांव तशेंचसांवत. सर्वांगाय

पुंडलीक हांचेसारकेल्या साहित्यिकांचो वाठार. नाट्यकला ह्या लोकांच्या शिरंत्रांनी घोळत आसता. सामकीं अगणीत अशीं नांवां घेवं येतात. मोस्त्राखातीर गोंयांकूच न्हय तर पुराय महाराष्ट्राक आनी राष्ट्राक भुषणावह असो मास्टर दत्ताराम हें एकूच नांव घेतल्यार लेगीत पुरो. अशे हे भूयेंत, कला संपन्न मातयेंत किल्लल्लो संजीव वेरेंकार हो कवी आनी नाटककारूय.

गांवांतलो सैम भुरगेपणासावन संजीव यथेच्छ माड्डीत आयला. वयर दिल्यात त्या पूर्वसुरींचो प्रत्यक्ष अप्रत्यक्ष वसोय ताचे ठांय नक्कीच दायजान ताच्या रगतांत भरसला.

हेर वाठारांतल्या बरोवप्यांच्या साहित्याच्या वाचना वांगडाच आपणाल्या गांवच्या सर्जनशील कलाकारांचो प्रभाव शैलेचेर तसोच सभाव, व्यक्तिमत्वाचेर पडप एकदम सभावीक. लेखनशैलेचोच आसत वा नासत, पूण कांय सभाव प्रवृत्तींचेर म्हाका संजीवाचेर लक्ष्मणरावाचो प्रभाव खूब जाणवता. तेचपरी मनोहररायाचोय.

मनोहररायांतलो लोककवी संजीवांत पळोवंक मेळटा. लक्ष्मणरावाच्या कथांतली प्रादेशिकताय आनी ताचो Nostalgia त रमपाचो सभाव विशेश संजीवांत पावला कणकणी दिसता, भोवतेक ताच्या कवितांनी व्यक्त जाता. मनोहरराय - लक्ष्मणराव हे हाडाचे कृतिशील समाजवादी आशिल्ले. दोनाय अर्थांनी ; मनीस म्हूण आनी कलाकार म्हणुनय. ते खऱ्या अर्थान लोकसाहित्यीक आसले. भावझुंबर ह्या संजीवाच्या पयल्या वयल्या कविता संग्रहाविशीं मनोहररायान बरयलां तें हांगा उद्घृत करीनशें दिसता :

'जंय कोंकणीचो वावर चलता थंय संजीव सदांच हाजीर. आयच्या गोंयकारांचे हावेस, उमेद, राग - तिडक संजीवांत पळोवंक मेळटात. केन्ना तो मोगरेकळ्यां वरी परमळटा, तर केन्ना कट्टेच्या इंगळ्यांवरी धगधगता. कुशीक कोनशाक बसून कविता करपी संजीव न्हय. तो लोकांतल्यान स्फूर्त घेता. ताची कविता लोकांमजगतीं घडटा. ताचेर भार आयला. तो फायचे क्रांतीचो. चिड्डिल्लो, माड्डिल्लो भौस ताच्या ओठांतल्यान उलयता, सुस्कारता, आड्डता. ताचें एकेक उतर म्हळ्यार पेटिल्ली चूड. रगत आटोवपी, लोखंड कडोवपी.'

संजीवाच्या कवितांची मोलावणी ताच्याच उतरांनी करूं येताली. ताणेंच ताच्या सारकिल्ल्या हेर कवींचो रासवळ प्रतिनिधी जावन, ' आमच्यो कविता तसल्यो न्हय...' हे कवितेंत सांगलां. ताच्यो कविता कसल्यो न्हय हेंय ताणें सांगलां, आनी 'खरेंपणी कसल्यो' तेंवूय अचूकपणान वर्णिलां. तो म्हणटा :

'... व्हिस्केचो पेग मारून
फ्लॅटांतल्या स्पंजाच्या मोवमोव

[illegible]

[illegible]

[illegible]

[illegible]

आपल्यो कविता न्हय...'

[illegible] '[illegible]' कविता? [illegible]

"... [illegible]

[illegible]

कुशीत [illegible]

[illegible]

काळजात [illegible]

काळीज [illegible]

आमविल्या [illegible]

[illegible] आपल्यो कविता

तोस्त्रकपाचे [illegible]

कोण पडना!'

ह्या कडव्यांतल्यो निमण्यो दोन ओळी [illegible] आनी कवींचो तोस्त्रणाय करपाचें भानगडींत [illegible] आयल्यात. [illegible] दिसता.

केन्ना केन्ना कवीच्या उतरांचें [illegible] गोबर जाल्ले इंगळेशे दिसले तरीय 'मुंबगतरो' [illegible] शिटकायता :

"[illegible]!

गोबर समजून म्हजे

पांय दिसात...

हुलपून वतले, कर्पून वतले'

वयलेवयर हांव गोबर दिसलों

तरी हांव गोबर न्हय
हांव पेट्ट्या इंगळ्यां परस
खर किटींचो मुंबर"

'भावझुंबरा' सावन 'मुंबरा' चे खरसाणींतल्यान तावून सुलाखून आयिल्ली संजीवाचे 'गांवांतले सांजे' ची कविता सबावीकपणान चड Maturity दाखयता. कवी माधव बोरकार हाणें मेजक्याच उतरांनी ह्या प्रवासाचो माग घेतला. बोरकार म्हणटा :

' ...इंग्लंडांत जाल्ले उद्देगीक क्रांतीक लागून गांवगिरे वाठार आवर्तिकायेंतल्यना गेले ताचें चित्र आमकां ओलिव्हर गोल्डस्मिथ हाचे The Deserted Village हे दीर्घ कवितेंत पळोवंक मेळटा. कोंकणी साहित्यांत गोंयचे आवर्तिकायेचें चित्र आयलां पूण आयज हें खर समाजीक वास्तव आमकां संजीव वेरेंकाराल्या 'गांवांतली सांज' ह्या नव्या कविता संग्रहांत पळोवंक मेळटा. वेरेंकार हो समाजीक परिस्थितीचें भान आशिल्लो कवी. 'भाव झुंबर', 'मुंबर' ह्या तागेल्या हे आदीं उजवाडा आयिल्ल्या संग्रहांनी ही जाणविकाय आयल्या. समाजीक जाणविकाये वांगडा सैमाचो मोग तागेले कवितेच्या विश्वाचो एक वेगळावं येना असो आशय. देखूनच 'भावझुंबर' ह्या तागेल्या कविता संग्रहांतल्यो

'म्हज्या प्राणापरस प्रिय अशा
प्रदेशाची सुंदराय जातूंत भल्ल्या
ती सैमरंगी पाचवींचार झाडां कापपी
त्या खाटकांकूय आमी पळयल्यात'

हे ओळींक वेरेंकाराल्या नव्या कविता संग्रहांतले कवितेच्या संदर्भांत खाशेलो अर्थ आसा. आजकाल उदरगतीच्या नांवान सैमाचेर हावळ येता. तें पळोवन कवी आकूळ पिकूळ जाता. आनी हाकाच लागून तांगेले कवितेच्या उतरांक धार येता..."

कॉंक्रिटाचीं जंगलां एके वटेन चरतें कशें पातळत आसा म्हणून कवीक खंत भोगता. पयलींचे वरी शेवर्णी लेगीत मुक्तपणान संचार करूं शकनात, मनशांनी सैमाचेर, पर्यावरणाचेर हावळ हाडल्या म्हूण तो कश्टी जाता. सगल्यांत म्हत्वाचें दुःख तें, मनीस आपणालें मनीसपण सामकेंच व्हगडावन बसूंक लागला. वचत थंय संवेदन हीनताय नदरेक पडटा. सबावीक पणान कवीच्या उतरांतल्यान खेद व्यक्त जाता. तरीय जावन अनपेक्षीत सुवातेर ताका मनीसपण दिश्टी पडटा तेन्ना ताची पिरंगण उणी जावन आशावाद पालेता.

अचकीत एखाद्या सुराट्या भितर माणसुकेचो आत्मीयतेचो झरो कवीक सांपडटा तेन्ना ताका पश्चातापा सयत उमाळो येता. हे नदरेन 'तोच म्हजो कोण तरी लागतालो' ही कविता एक खोलवेर परिणाम सादता. गांवांन हुंवाळून उडयल्ल्या सोरेकारा ठांय कवीक मनीसपण होलमता. कवी म्हणटा :



" मुळावल्यांतूल ती वाट चुकली
आनी खुणांचे खांब पाडल्ले
पो म्हाच्या पोटाच्यानीच
गजबजल्ली आनी हुगमळांत
मीठ मागूक लागली
आमचें मागें
तशूं वाटेंत कल्याणी
नाटक करप्याची माळा
कळना भोंव भोंव भोंवली
....
म्हाका मात्शी लाज दिसताली
पूण, म्हजें येवपाक
गांव मेगीत आयलें म्हज्याक
तो मांय येवन पावल्यार
घेवन नाचताली
हें म्हाका तो मेल्लो
तेन्ना कळ्ळें... "

हो संजीवाच्या समग्र काव्य योगदानाचो मगुह असो दिसलें म्हूण कवीचेकडल्या सगळ्या जुन्या काळांतल्यो कविता ताणें हातूनल्यान कडेक दवरल्यात असो दिसता. काटल्या दोन -तीन संग्रहांतल्यो कविता एकठांय वाचनकोर कवीचें मन कशें घडत गेलें हें म्हळ्यार - आध्यात्मिक सोयीचें जावं येता.

लक्ष्मणराव सरदेसायाचो उल्लेख वयर केलाच. योगणी समाज रचना बदलता, योगणी कुटुंब बदलता आनी प्रासादांचे 'बुरूज ढासळटात', म्होसपण शेमत वता हो आशय मात्सो वेगळ्यान वेरेंकारान खरसाणीन व्यक्त केल्लो हांगा पळोवपाक - वाचूंक मेळटा. लक्ष्मणरावाचें आनी संजीव वेरेंकाराचे नदरेंतलें हें विलक्षण साम्य नदरेंत भरपा सारकें. ते मानान संजीव चाल्ली लावन गीत करपाचे घरतेच्यो कविता चडशो बरयना, समाजवादी प्रवृत्तींचे कवी गायक मोडता तें गीत केल्लें तरेचें. सरसकट lyric परस वेगळी वाट आपणावपी.

हो कवी जिवीत आनी कवीत हांचेमदीं फरक करीना. जसो तो जियेता तसोच तो बरयता. जे





परी बरयता तसोच सदांच्या जिवितांत जियेता आनी वावुरता. सामको Transparent. कविता हें ताचें रुपडें न्हय, कवितेच्या पानांमदीं, उतरां फाटल्यान कवीचें मन लिपलां. स्वताच्या तशेंच हेरांच्या सुखदुःखाचीं स्पंदना ताच्या काव्यांतल्यान व्यक्त जातात. एका कवीन म्हणून दवरलां :

"जे रचीत वेतात फुडार
पूण जांकां फुडार ना
तांचे खातीर गीत म्हजें"

संजीवाचे कवितेंतल्यान समाजाक वेगळावंक मेळना, सैमाक कडेक काडूंक मेळना. तेचपरी समाज, सैम हींवूय ह्या कवीच्या भावविश्वाचो अविभाज्य घटक.

प्रा. काशिनाथ नायक हाणें "संजीवाच्या काव्यांतली संवेदनशीलता" ह्या पुस्तकांत कवी वेरेंकाराच्या आजवेरच्या तिनाय कविता संग्रहांचेर आनी कांय स्फूट कवितांचेर विस्तारान भाश्य केलां. काशिनाथाच्याच उतरांचो आपरोस हांगां ह्या प्रास्ताविकाच्या समारोपा खातीर वापरीन दिसता. प्रा. नायक बरयता :

"कवीन आपल्या तिनूय काव्य झेल्यांतल्यान कवितांचे वेगवेगळे प्रयोग केल्यात. पूण जसो जसो काळ सरला तसतशे कवीचे विचार प्रणालींतूच बदल घडत गेला, तशीच ताची कविता प्रगल्भ जायत गेल्या. तिनूय कविता झेल्यांचेर नदर मारतना कवीन मनीसपण आनी भुंयेकडली नाळ सोडूंक ना म्हणपाचें स्पश्टपणान दिसून येता. ताची कविता ही समाजाकडेन आपलें वेगळें नातें सांगपी. चिड्डल्ल्या माड्डल्ल्या मौसाचो प्रतिनिधी. देखून तांच्या कवितांनी समाजीक आशय चड दिसता. ताचे कवितेंत तो जें जगला तेंच आयलां. ताणें स्वताक एक प्रतिभासंपन्न कवी म्हूण सिद्ध केलां. आपणाली खाशेली वळख कवितेंतल्यान घडयल्या. फकत कविता बरोवन रावना तर प्रत्यक्ष चळवळींत वांटो घेता. जावं मनशांचेर अन्याय, जावं सैमाचेर, तो पोटतिडकीन- आकांतान वावुरतना दिश्टी पडटा..."

संजीव वेरेंकाराची कविता 'संजीवनी' जावन ताका फुडाराक तशेंच हेरांकूय स्फूर्त दायिनी जावन अदीक फुलची, विकसीत जावंची अशे म्हजे आंवडे...

प्रकाश जी. थळी
बांदोडें, फोंडें
20-07-2009



मांडावळ













शांत सांज

शांत सांज गाळटा रंग
निळरंगी मळबांतल्यान
उजवाडाचे थेंब थेंब
कळना कशें
मन भुल्लां मन रंगलां
कल्पनेची रंगमाळ
गुंथतनारे
शांत सांज गाळटा रंग
दिसाभराची गावन भैरवी
ल्हारां ल्हारांचो उबयत दर्या
भिरभीर संवणी झाडांर आयलीं
लाख पाखांचे शिपले रंग
झाडां जालीं दंग दंग
शांत सांज गाळटा रंग



येरे येरे पावसा

येरे येरे पावसा
नाचत नाचत यो
उडत उडत यो
गोंयच्या [illegible]
आमच्या [illegible] यो

येरे येरे पावसा
दोंगरा माथ्यावेल्यान
शेता कुळागरावेल्यान
मळण्या [illegible]
रुख्रां आनी [illegible] यो

येरे येरे पावसा
घमघमाटान यो
माणकुल्यांचीं व्हडलीं व्हाळक
तळ्या म्हळ्यांनी
उदक व्हांवयत यो



भुरगेपणांत

आंकड्यांच्या गणीताचें
आनी म्हजें केन्ना जुळ्ळेंच ना
देखून भुरगेपणांत
जठार मास्तराच्या भंयान
कितलेशेच खेपे शाळेक चुट्टी लावन
रावलो अडुळशांनी लिपून...
हुमल्यांच्या हुळहुळ्यांनी
आनी घामाच्या पावळ्यांनी
जीव घुसमट्टालो अडुळशांनी
शाळेचीं वरां सोंपून सोंपनासलीं

केन्नाय आवयक
सुलूस लागतकच
बडी घेवन लागताली फाटीक
तेन्ना खांद्यावयलो बोटवो
झिलीनी उडोवन
धांवतालो वाट मेळत तेवटेन
पूण दनपार जातकच पोटांत कावळे रडटाले
आनी लजमाणको जावन
घरांत भितर सरतालो
मागीर दिसतालें
झक मारलें आनी लिपून रावलो
ह्या उतळतापा परस जठार मास्तराचो मारूच बरो



गांवातली सांज

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
तेन्ना म्हज्या गांवांतली सांज येता

फटो [illegible]
[illegible]
आनी [illegible]
शेजारचो [illegible]
च्यानो [illegible]
[illegible]
[illegible]
आनी चैत्रातलो चाफो कसो
ताच्या बायल भुरग्यांच्या ओंटार
हांसो फुलना
तेन्ना म्हज्या गांवांतली सांज येता !

सांकवा सांकवार
कुळवाड्यांची गर्दी जाता
विडये, शिगाराचे झुरके मारीत मारीत
तिट्यार चकाटां रंगार येता
आनी विठ्ठलाल्या भज्यांच्या वासान
सगळ्यांच्याच तोंडाक लाळ सुट्टा
तेन्ना म्हज्या गांवांतली सांज येता!

गांवचे म्हजे सांजेक
लय आसा ताल आसा
मळबांत लुकलुकपी नक्षत्रांचो
उजवाड आसा
खोबरें मळपी पारकाराल्या घाण्याचो
ठेको आसा
गांवची म्हजी असली सांज
तुमकां शारांत केन्ना दिसल्या व्हय ?

पाऊस

आपण...
खूप वर्षांनी
आपल्या घरात
पडला पाऊस...
पडला पाऊस...

इतक्या वर्षांत
फक्त स्वप्नात
घराचे पडदे आपले
तोच पाऊस...
तोच पाऊस...

संवण्या म्हज्या मोगा


संवण्या म्हज्या मोगा
वचगो उडून आतां
मन म्हजें उडून गेलां
खंयतरी रांना...!
कशें उडूं सांग म्हाका
म्हजींच पांखां लावन पुता
मन तुजें उडून गेलां
पयस पयस गांवां
तांबडे मातयेचे कणकण हुंगताना
दिसता म्हाका दिसता म्हाका
मन तुजें शेता बांदार कुल्ल्यो गरयता
कणसांतले पोटीर चोखीत
शेत शेत भोंवता
मन तुजें बालार टवलो मारून
काई व्हरता
गड्ड्यार गड्डो मोखून
गड्डे जोडटा
मन तुजें हुमलो जावन
ताळये ताळयेर भोंवता
संवण्या म्हज्या मोगा
कितें करूं सांग आतां
पानाविणें रूख कसो
मनाविणें हांव हांगा
तळमळटां तळमळटां

प्रवाशी

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
[illegible]
आनी [illegible]
[illegible]
[illegible]

हाच कोण
ह्या एकाच प्रश्नाची जाग
सोंदपाचे तंटोन आप्तजनात
निमाण्या वगगाची वस घेवून थकली



मार खोट घाल भितर
अशें म्हणत
हुंदराच्या बुराकाक गुड्डो मारचो
तसो किलिंडरान
म्हाका बशीत धोंगशीलो

तेन्ना जात्रेंतलो बोमाडो फुटचो
तसो म्हज्यांतलो हांव
ठुस्स् करून फुटलो
म्हजें एक एक बिरूद शेणत रावलें
हांव कोण नासलो !


हांव आसलो फकत
वेंतभर पोटाचे भरीखातीर
दिसभर घाम गळोवन
बसीचे दाणयेक गोळ मारून
रातचो घरा परतुपी
एक सर्वसामान्य प्रवाशी...

आमोरी

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]



वाऱ्या वाऱ्या

कवळ्या मनां
फुटून पाखां
गेलें मन
कुपांगणा

वाऱ्या वाऱ्या
धांवरे आतां
मन म्हजें
हाडुंक पुता

मन म्हजें
पयस पयस
कुपांकुपांत
विरून गेलां

खंयचें मन
खंयचें कूप
एकूच आता रंग- रूप

वाऱ्या वाऱ्या
धांवरे आतां
मनाविणां
हांव रे हांगा



चूड

[illegible]
धूम धुमाच्या [illegible]
[illegible]
[illegible]
धुम धुम धुमती
ही चूड
आगत [illegible]
कितल्यों [illegible]
ही चूड धुमतां
हे चूडींत कोणीच [illegible]
ही चूड, कोणीच [illegible]
वाट पळोवन [illegible]
काळजांत उगडें [illegible]
आनी चूड आपशींच [illegible]
ही चूड, गांव आटोवतां
ही चूड, लोखंड कडोवतां
ही चूड सगळ्यां नाडानें भस्म करता



ही चूड फायच्या उजळ फुडाराची
बियां रुजोवपी!
ही चूड, म्हजे मायभाशेची!

आयज हात जरी हुलपले
चूड आमी सोडचेना
ह्या नाडांचें भस्म केलेबगर
चूड आमी पालवचेना
चूड ! चूड पेटत रावतली...

हे चुडींतल्यान शिंपडपी
दर एक किटाळ, फाल्यां
भूंयेर भांगराची फुलां फुलयतलीं
चूड पेटत रावतली...



शांत सांजे

[illegible]
तुळशी पडतो पडता वात
युगा युगा अगम

सृष्टी आगार
चैतन्याचे येता कळे
सदाकाळ फुलय

मळ्यांतल्या
नक्षत्रांची आचालीता
नित्यनेमान खेळय



तोच म्हजो कोणतरी लागतालो

तो म्हजो
कोण तरी लागतालो
भुरगेपणातच तो वाट चुकलो
आनी खंयचे खंय पावलो
सोऱ्याच्या घोटाखातीर
वसवसलो आनी दारादारांत
भीक मागूंक लागलो
आमचे सारके उजू वाटेन चलपाचें
नाटक करप्यांनी ताका
फकत खेप खेप खेपलो
पूण वाट दाखयलीच ना.
म्हाकां जाल्यार ताचो केन्ना उगडासूय जालोना
लग्न आसूं, बारसो आसूं,
वाडदीस आसूं
हावें ताका कित्याकच केन्ना आपयलो ना
म्हाका ताची लज दिसताली
पूण, म्हजें पेपरांत
नांव लेगीत आयलें जाल्यार
तो खंय पेपर माथ्यार घेवन नाचतालो
हें म्हाका तो मेलो
तेन्ना कळ्ळें...
खऱ्यानीच, तोच म्हजो
कोणतरी लागतालो.



नाका नाका म्हणटना

नाका नाका म्हणटना
कळना कशी [illegible] [illegible]
ह्या काँक्रिटच्या रानांत
[illegible] [illegible] [illegible]
[illegible] [illegible]
[illegible] [illegible] [illegible]
[illegible] [illegible] [illegible]
[illegible] [illegible] [illegible]
[illegible] [illegible]
[illegible] [illegible] [illegible] [illegible]
ह्या काँक्रिटच्या रानांत

कळमेल्ल्या नळाचे तोटयेंतल्यान
थेंबथेंब उदक झिरपताना
मनाक म्हज्या फुटटा पाखां
आनी दोंगरा पोंदच्या वझऱ्याचें
घसघशीत उदक न्हांवक
मन म्हजें उडून वता
पैसुल्ल्या म्हज्या गांवांत!

जंय अजुनय
मनामनांचे वसंत फुलता
रुखा खांदयानी एकाच सूरान
संवर्णी गायतात
जंय कोणालेय रांदनीर
सळसळुंदी केन्नाय कसलेंय आदन
येता ताचो सर्वय सुगंद
कोणाल्याय काळजार जावंदी घाय
सगळ्यांच्याच दोळ्यांत येता दुखांची साय...!

अशा म्हज्या गांवाचे
सदांच म्हाका दुवाळे
तरीपूण नाका नाका म्हणटना
कळना कसो हांवूय पावलो
ह्या कौंक्रिटच्या रानांत



क्रांती

पेटटा होमखण
पेटटा होमखण
पिडडल्ल्या माडडल्ल्या पोटाल्ल्या
भामा भामातल्यान
पेटटा होमखण
पेटटा होमखण ...

देवून काळजान
सगळेंतल्यान भाडडून मागता
नाडगानी.
पेटल्या होमखणातल्यान
कोलन्यो फाटीं काडटाले
दीस आतां फाटीं पडले
फाटीं पडले ...



आतां क्रांती
फकत सभाघरांचे
माचयेवेल्यान येवचीना
क्रांती!
शेतांतल्या कणसां कणसांतल्यान
दर्याच्या दर एका ल्हारांतल्यान
रेवेंच्या कणाकणांतल्यान
मळबांतलीं पेट्टीं नक्षत्रां
झोंबून घेवपाचो हावेस
बाळगून येतली...

क्रांती...
चिड्डल्ल्या माड्डल्ल्या भौसाच्या
आंगणांत, कितलेशेच
सत्याच्या उजवाडाचे सूर्य पेटोवन,
नाडंग गिरेस्तांच्या घरादारार
आगेल जावन घालून घेतली.



चवन शार

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
एक 'चड' अब आस्ता
कोणा येनल्या वनल्या
सुटबुटवाल्याचे कुडांनीं
सगळीं मेजमाना
ताच्या एकाच दोळ्यांत
काळ्खांतूय दिश्टी पडटा.

एक झाड शिरंगारता

निळनिळपी नीर निळें
देखुनी तळ्यां
सांज वेळां,
तळ्या कुशीक एक
झाड शिरंगारता
सळ सळ सळ सळ
पानां वांगडा वारो किटकिट्टा,
वाऱ्या वांगडा पानां सळसळटा
तळ्या कुशीक एक
झाड शिरंगारता
झाडावयलीं
पानां सुकीं खेळटा खेळटाना
वारो झडयता
तळ्या कुशीक एक
झाड शिरंगारता
पानां कणकणीं
निळ्या निरांत ओले तरंग
मन जागयता
तळ्या कुशीक एक
झाड शिरंगारता
झाडा माथ्यार
सूर कोगळीचे भांगर गीतांत
सांज मनयता
तळ्या कुशीक एक
झाड शिरंगारता

ह्या उबत्या मळबांत

ह्या उबत्या मळबांत
आमकांय [illegible] [illegible]
[illegible]

ह्या उबत्या मळबांत
आमकांय [illegible] [illegible]
ह्या मळबांतल्या [illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

पूण हें मळब [illegible] ना
देवून [illegible] [illegible]
आमकां मळब [illegible] एक नवें
निर्माण करचें पडलां...



मुंबर

खबरदार !
गोबर समजून म्हजेर
पांय दिशात...
हुलपून वतले कर्पून वतले

वयलेवयर हांव गोबर दिसलो
तरी हांव गोबर न्हय
हांव पेट्टया इंगळ्यांपरसय
खर किटींचो मुंबर

म्हज्यांत उजो खतखतता
म्हज्यांत किटी रखरखता
केन्ना पेट घेत सांगू येना...

सभाग्यांनो
म्हाका माड्डयशात
पांय हुलपावन घेतले ... !



परंपरांचे गाठवल

[illegible]
[illegible]
[illegible]...

[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
ह्या [illegible]...

मागत भागत फिरकटलय
तें वगारवानं गाठवल...
कितें पळयतात
कितें आयकतात
अजून कशें गतल्या वगें?...

ह्या परंपरांच्या होमखणांत
तुमच्याच पोग्यान किल्लें
एक झाड जावन हांव हुलपता
हांव करपतां...





हे वडा

हे वडा, ज्या दिसा तूं
ह्या वाठारार किल्लो
त्या दिसा हांगा कितली
खोस पातळ्ळी म्हणून सांगू...?
फुडाराक ह्या वाठारार सावळी जावन रावतलो
ही आमची आस...
दिशी दिशी तूं वाडत गेलो
वाठारभर बळावलो
आनी सावळी जावन रावचे बदला
हांगा सांवट जावन रावलो
हे वडा, तुज्या सांवटापोंदा तुजे कितलेशेच पूत
रोंपले जावन किल्लल्यात
ते वयर सरूंक आशेल्यात
तांकां तांच्या फुडाराची वाट
उक्ती करून दी मळबाक गंवसणी घालपाचें
तांचेंयबी एक सपन आसा
पूण तुज्या सांवटापोंदा ते झिंगल्यात
हे वडा, तूं सुवार्थी
आपलो कार्यभाग आटपून
आपल्या मोक्यांक
फुडाराची वाट मोकळी करून दिवन
आपूण जावन कुशीक सरपी
त्या कुळागरांतल्या केळम्याची
मात्शी देख घे...!



कुराड उबारपाकच जाय

हे वडा
तुजें मांवट आता दिसो दिसो
वाडत गेलां
आमी तुज्या मांवटा पोंदा
मळब पळोवंक आशेवंतीं
हजार हातां झिंपून गेल्यात
[illegible] काडून गेल्यात
आमी कितलें [illegible]
'हे वडा, मानशी कुळाक पळ
तुजें मांवट झडय
आनी म्हाका मळब दिसय'
पूण तूं हालोंना
आमी वाट पळय पळय पळयली
कितलीं पोडां आयलीं
कितलीं पोडां गेलीं
तुजें मांवट झडना
आनी म्हाका मळब दिसना
आतां वाट पळोवपांत अर्थ ना
तुज्या मांवटा पोंदा घुस्मटिल्ल्या
रुखांच्या फुडारा खातीर
तुजें मांवट हाणपाकच जाय
देखून म्हाका कुराड
उबारपाकच जाय...



गाडो

त्या म्होडक्या गाड्याक
हांवे रोदां लायलीं
आनी गाडो धांवत सुटलो...
फाटीं वळून पळयनासताना
म्हाका हांगाच सांडून
गाडो धांव धांव धांवतालो
वाट मेळत तेवटेन
ओलें - सुकें सगळें माड्डित धांवतालो
कोणाक खंय आड घालीत सांगूयेना
गाडो आतां खूब पैस पाविल्लो
गाड्याक रोदां लायतना
हाताकडेन 'ब्रेक' लावंक
विसरलो म्हणपाची,
तेन्ना म्हाका याद जाली
पूण तेन्ना तो गाडो
खूब पैस पाविल्लो
गाडो, धांवत सुटिल्लो
फाटीं वळून पळयनासतना...
आतां मात कोणेय कितलेंय
म्होडके गाडे हाडूं
ब्रेक पयलीं लायतलो
आनी मागीरूच रोदां लायतलों.

वसंत

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

म्हजें भुरगेपण

आंगणात
म्हजें माणकुलें स्नेहा
पुटू पुटू पेदेलां मारीत
सायकल चलयता तें पळोवन
म्हज्या दळिद्री भुरगेपणाक जाग आयली
तेन्ना फाटलेवटेंतल्या
भाटकारालो नातू राजांगणांत सायकलीचीं
व्होल्तां मारतालो तें पळोवन
आवयचे हांडीर बसून
कुसूंय कुसूंय करून
हांव धोंगशे मारतालो
तेन्ना म्हजे आवयक
कसल्यो वेदना जाल्ल्यो
आसतल्यो काय...!

कॉंक्रिटच्या रानांत

कॉंक्रिटच्या ह्या रानांत
[illegible]
हांव अवकाणी
[illegible]
मूं मोवता
[illegible]

ह्या रानांत
झाडां नात पेडां नात
संवणीं नात मावळां नात
हांगा [illegible]
सिंग, कामत, नायक, [illegible]
मावार मावन मानव

हांगा चवथ ना, दसरो ना
दिवाळी ना...!
पूण [illegible]
नरकासूर मात नाचतना




हांगाय कोणाचोय बापूय मरता,
आवय मरता, भाव मरता,
भयण मरता, भुरगो मरता
पूण कोणूय शेजारी अडाणी म्हणत
हे लटके भिरांतेन
कोणूच केन्ना गळो फोडून रडनात

देखून नीतिचीं कसलींच मुल्ल्यां
हांगा केन्ना पोसवना
तरीपूण काँक्रिटच्या ह्या रानांत
हांव अडाणी
कितलेशेच दीस जाले
शेणिल्ल्या मनीसपणाचो सूर सोदतां...!



वडा तुजी दशा

हे वडा
तुजी [illegible]
तूं [illegible]
[illegible] !
तुज्या [illegible]
मुळांच्या [illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
तूं [illegible]
[illegible]
[illegible] !
हे वडा, तुज्या [illegible]
[illegible]
[illegible]
तिच्या [illegible]
नाका [illegible] नाका [illegible]
नकळटाच [illegible]
तुज्या आंगाक [illegible]
[illegible]
आनी [illegible]
तूं जाल्लो [illegible] !



पालखी

पालखी
तुमच्या खांदार जड जाली
तेन्नाच तुमी आमच्या खांदार
दवरली
आनी मर्दीच खांद सोडून
ल्हवूच कूस मारली

खरें म्हळ्यार
हे पालखेक आमच्याच
भुजांची गरज आसली
आतां कोणे चिंता करपाची
गरज ना
आतां मर्दी पेणें खंयच ना
पालखी देवळामेरेन वतली



सपन

म्हाका अशें एक घर जाय
तें आभाळाक [illegible]
सूर्याची [illegible]
मोगामातलीं [illegible]
[illegible]
आशे [illegible]
अशें म्हाका एक घर जाय

सकाळ उदेतान
शेजारच्या उम्बावाल्लें फुलां
आगणात म्हज्या शिल्ल्या मोळांतलीं
दनपार जातान
मुस्त्रावयल्या जाकिनाल्या
आदनाची वासयूस करूक
जंय दागत म्हजी
आवय उबी आसतली
अशें म्हाका एक घर जाय



घरांतल्यान भायर सरताना
कपलाक बिबूत लावंक येवपी
जंय म्हजी ऐशीं वर्सांची आजी आसतली
रातचो कळाव करून
भितर सरतांच सोप्यार बशिल्ले कडल्यान
दोळे वठारून पळोवपी
जंय णव्वद वर्सांचो
म्हजो आजो आसतलो
अशें म्हाका एक घर जाय
अशेंच म्हाका एक घर जाय



वसंत गीत

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

सळ- सळ- सळ- सळ
पिंपळा सळसळ्ळो,
चांफ्या ओंठार फुल्लो हांसो
सों-सों-सों-सों
नाचता वारो,
आंबे पणसुलां घेता झोपाळो
श्रृष्ट मनयता वसंत सुवाळो
वसंत सुवाळो...

नव्या पानांचे, नव्या सपनांचे
रुखा खांदयांनी
घोटेर झळकले
घोटेरांत रंग संवण्याचे
धुंद गळे,
आळंव लागले
सूर म्होंवे...,
सुरांसुरांत वसंत रंग
वसंत रंग
दिकां दिकांत वसंत गंद
वसंत गंद...

समिधा

[illegible]
[illegible] होमखुणांत
[illegible] आमी [illegible] [illegible]
हें होमखुण, [illegible]
[illegible] मारून [illegible] [illegible]


[illegible]
पवित्र [illegible]
पेटयल्लें दिव्य होमखुण
जातून कितल्योशोंच [illegible] [illegible]
जळून गेल्यात...

आतां
त्याच [illegible]
हें होमखुण, मंथन करपाची
सगळी जावबदारकी
भुजार मारून आमी आयल्यात
ह्या होमखुणांतल्यो
समिधा जावन पेटपाक...



यादींचो झुंबर

हांगा म्हजे
वळखीचें मळब ना
हांगा म्हजे
वळखीची माती ना
हांगा म्हजे
वळखीचे इश्ट ना
दखून
मन अशें सैरभैर जालां.
सैरभैर मनमळबांत ह्या
धोलूंक लागल्या
फक्त गत यादींचे झुंबर...
यादींच्या ह्या झुंबरांत गाजता
त्या कुळागरांतल्या व्हांवत्या पाटाची
जळ झुळझुळटी गाज...
यादींच्या ह्या झुबरांत गायता
त्या कणसा गळ्यांतलें
भांगर गीत...
यादींच्या ह्या झुंबरांत हुमकळटा
त्या माडावयल्या रेंदराचें
एक कांतार...
आनी खिणाक दिसता वचचें पर्थून,
दिवन ह्या शाराक एक
निमाणचो सलाम
निमाणचो सलाम
पूण...



आम्ही वाट चलताले

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
आमच्या [illegible]
आनी आम्ही वाट [illegible]

उडूंक येना मुक्त मळबांत

निश्पाप मनीस जीणेक
गोळाक लावपी
कुड्ड्या परंपरांचे बंदपास
अजून तुटना...
अजून तुटना...

हे बंदपास म्हाका तोडपाक जाय
ह्यो कळमेल्यो सरयो
म्हाका बागोवपाक जाय

कित्याक तर!
आयज म्हजेय जिणेक
ह्या परंपरांचो वेटाळो पडला
आनी उडूंक येना जालां
ह्या मुक्त मळबांत
आनी पेवंक येना जालां
ह्या मुक्त दर्यात...

तो दीस

[illegible]
[illegible] मानवतावाद
ना कळून हे भरीत
मानवतावाद हाडपाचे
तुम्ही केल्ती [illegible]
भाषणा आणी उपदेश
आम्ही आमकले

तुमचे प्रयत्न
तुमचे प्रवचन
तुमच्यात विचारक
वास्तव स्वरूप
आणी वास्तव दिशा
दिव्याम्यातीर केल्ली हो
आमच्या जिवांनाचा [illegible]
आयज तुमचे मनुष्य सादर करता

पुरे झाली भाषणा
पुरे झाले उपदेश
समाजातल्या जातीयवादाचे कपडे
टराटर पिंजून उडोवन
हे धरतीर प्रत्यक्ष मानवतावाद
हाडपाच्या विचारांचे चळवळींचे

बुन्यादी फातर जावपाचो
पयलो मान आमी घेतले,

तुमचे खांवपाचे दांत
आनी दाखवपाचे दांत
पारखुपाचे तुमचे
सत्वपरिक्षेचो वेळ
समेस्तांनो,
आतां लागीं पावला!

ज्या दिसा...
तुमच्या मानवतावादी
विचाराक आमी मूर्त रूप दितले
वास्तवाचो आकार दितले
तो दीस...
खऱ्यानीच हे धर्तरेवेलो
भाग्याचो आसतलो

त्या खिणाक
हे रंगमाचयेर
तुमचें सवंग कशें आसतले काय?
तें पळोवपाची आमकां
उमळशीक लागल्या...

हांव प्रसादाक फटवलों

[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]

[illegible]
[illegible]
वयर कळसाक [illegible]
हांव प्रसादाक [illegible]
म्हजेंवयी आनीकूय [illegible] [illegible]
हात न [illegible] [illegible]
अशेंच फटवल्या [illegible]
म्हाका देवळांतल्या
त्या भटाचो [illegible] [illegible]
दुसरे फावट भटाच्या हातांतल्यान
झोंपय मारून दोनी [illegible]
हांवें [illegible] [illegible]
आनी रित्या हाताचें [illegible] [illegible]
देवळासावन हांव [illegible] [illegible]
झोंपय मारूनूच [illegible] [illegible]...



म्हाका सावर सावर

तुज्या
यादींचो
झुलता झुंबर
झुलता झुंबर
आनी
दोळ्यांतल्यान
अळंग गळटा
टपटप
अश्रुंचो शिंवर
अश्रुंचो शिंवर
तूं नासून
हांव हांगा सैरभैर
जाला पिशांतूर
मोगा, आतां
म्हाका सावर सावर



वनमहोत्सव

[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
ह्या [illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
[illegible]
ह्या [illegible]
[illegible]
[illegible]
प्रसंग आयज उबो आस्सा
आनी थरथरतो रोपुलो
[illegible]
'म्हाका [illegible]
ह्या निर्दयी हातांतल्यान म्हाका
कोण्यतरी काडून घेयात'
भिआंकूळ रोपुलो [illegible]
काळीज तोडून आडडतालो
पूण ताच्या [illegible] आवाज
आयकून घेवपाक ह्या [illegible]
सुवाळ्यांत [illegible] वेळ [illegible].



पावस कुपां

इतले दीस वतान कर्पल्ल्या
म्हज्या पाख्याच्या नळ्यांक
आयज तानसूर उठला

घरा माथ्यावेल्या मळबांत
कुपार कुपां दाटून येता तीं पळोवन
पावसाच्या थेंब्यांक आशेल्ले
कर्पल्ले नळे मळबा वाटेक
नदर थिरावन रावल्यात

पूण सोंशेवपी वाऱ्याच्या भारान
घरा माथ्यावेली हीं मळब कुपां
पावस जावन खंयच्या गांवां
कोणाच्या घरार झडत
हें मात सांगू नजो...!



काँक्रिटाची रानां

जांगेक जाल्लें चरतें अशें
कान मेळत थंय चरत वता
तशी ही काँक्रिटाची रानां
माती मेळत थंय वाडत वता
माती मेळत थंय बळत वता

झाडां पेडां हुमटतना
रडटा सैम घळघळ्यां
तरीपूण कळना तांचें दुख्ख कोणा
ह्या काँक्रिटच्या रानांत फकत
दुडूर देवा दुडूर ब्रह्मां...

हांगा संवण्यांची चींवचींव ना
वझऱ्यांचो झुळझूळ ना
मनीसपणाचें गीत तर
केन्नाच अंदलें
ह्या काँक्रिटापोंदा



काल पयर लेगीत
संवण्यांच्या म्हौव्या सुरांनी
न्हांतालीं हीं असंख्य रुखां
आतां रुखांय ना
आनी सुरूय ना
उरल्या ते फकत
सुरांचे गाज
तेय बी फकत कविच्या मनां
ह्या काँक्रिटाच्या रानांत
फकत दुडूर देवा दुडूर ब्रह्मां...

ह्या रानांत हालींच
म्हज्या एका इश्टाचो
बापूय मेलो...!
पाचारूंक सोपणां चडटा चडटां
करपल्ल्या भावनांचो दर्प गेलो नाखयां
आनी हांव फाटले फाटीं परतलों
पाचारी नासतना त्याच खिणा... !

जीणें

हांगा कोणा मनाचे वसंत फुल्ल्यात
कोणा मनाचे शिशीर झडल्यात
चरतें जाल्ल्या गच्च घरांनी
कसलोच लागना थांग !

हांगा, कोण कोणाचो
न्हयरे सखो -सोयरो
न्हयरे इश्ट, आपलो पेलो
वेव्हाराच्या घुंवत्या माळ्नाचो
मनीस एक शेंणिल्लो खिळो !

यंत्रासारकें जिणें आमचें
मनीसपणाचें जुळना नातें
एक सारकें बळत गेलां
चरतें ह्या शाराचें...

आमोरेर

काळशा कुपांचे चडटे आमोरेर
कोणा माथ्यांत जायो झुळझुळ्ळ्यो
आनी ओल्या मनाच्यो गारगारशो
श्रावणसरी सळसळ्ळ्यो

भितोडेचो मधूर वझरो
तळपा कानांत गीत गुणगुणलो
आनी काळजाच्या झुंबरांतल्यो
यादी जायो जावन परमळ्ळ्यो

शांत उर्बी मळबापोंदा
कुडू कुडू न्हाता झाडां
झाडांच्या पानापोंदा
शिरशिरता संवण्या पाखां

काळखे रातीच्या मळबांगणांत
काजुलवातींचे पेटले दिवे
आनी मनामनांत
उजवाडांचे फुल्ले कळे

सैम

गांवांत म्हज्या
सैम घसघसून आंतता
करपल्ल्या ताळ्याची तान लेगीत
थंय जळाविणेच भागता

अजून मूळ धरना

इमारतींचें गर्देगर्देंत
वर्सां वर्सां सरली हांगा
तरी दोंगरा मुळसांतले
गांवचे म्हजे सुरंगीचो परमळ
कळना कसो
अजून नाकांतल्यान सरना
बांदावयल्या झाडाझाडांर
संवण्या पाखांचे शिरशीर रंग
अजून दोळ्यांतल्यान हालना
कणसा कणसांच्या कानाकानांत
गीत आळवपी
कामेऱ्यांचे सूर म्होंवे
अजून कानांतल्यान वचना
इमारतींचे गर्देगर्देंत
वर्सां वर्सां सरलीं हांगा
एकूय ऋतू फुलना
एकूय ऋतू फळना
एकूय ऋतू कळना
कितलें खणलें कितलें रोयलें
कळना कशें
अजून मूळ धरना
देखून मन म्हजें
सोदता वचूंक आतां
आसलें तशें गांवां

कणसा कांनात

कणसा कांनात
सांगून किर्दे
संवर्णे गेल्यां
दोंगरा रांना

दोंगरा रानां
भोवून संवर्णे
घुंगरां वाजयत
भांगर पुंजायता

कणसा मनांत
गीत नवें
गुणगुणटा
कणस अंतरां

भांगरा मुकूट
बांदून कणसान
संवण्या मना
सपन फुलयलां



धाय दिकां
लावन दोळे
लख्ख पिकून
कणस पिशें

दाण्यां दाण्यांत
संवण्या मोगा
जागता ल्हार
जागता ल्हार

कदीम काळा
दोंगरा रानांत
कानांत किदें
गेल्लें सांगून
कणसा मोगा
संवणे तें
अजून काय
आयलेंना.

संवण्या यादीन
कणस आतां
सामकें पिशें
सामकें पिशें...



झूज...

भर दनपारां वताच्या कडार
ताणी वायूडल्यो तरसादी
आनी...
त्या तरसादींचो प्रतिकार म्हूण
पेटत्या उज्याच्या प्रखर झळ्ळ्याभशेन
आमी माळ्ळी मांडून उतरां आपलीं
सूर्याच्या उजवाडा परस्पुय खर अशीं।
ती अखंड उतरां
मळबापेंरन पावलीं
धाय दिको लखख पेटोवन
कुपां फोडून जांगल्यां पेटयलीं
तेन्ना तांच्या हातांतल्या तरसादींच्यो
धारो बागोवन, तांच्या लटलटपी थरथरपी अशा
हातांतल्यान, त्यो तरसादी धर्तरेर कोसळ्ळ्यो,
आनी आतां,
उदेत्या सूर्य प्रकाशाचे भिरांतेन
बिण्ण काळखाचे घोलींत बसून
रातच्या वेळार आड्डुपी घुबडांभशेन
ते शेजाऱ्याल्या ताटापोंदचे
उष्टें शीत ल्हेंवपी,
नाककात्रे बुकले कशे
ते, श्वास कोंडिल्ले, वाघरें पडिल्ले
हुपये माकोड कशे,
जीव वचना म्हुण हातपांय बडयताना दिसतात...



असो उलो

असो उलो
कोणाचोच आयकूंक येना
जंय, जाच्या उल्याक आमी साद घालचो!

आमच्या शिरंतरांतल्यान
सळसळपी विजेवरी क्रांती,
हड्ड्यांतल्या श्वासा श्वासांतल्यान
अन्याया आड पेटपी इंगळे
पालोवपीच आतां चड जाल्या
चड जाल्या...

असो उलो कोणाचोच
आयकूंक येना जंय, जाच्या उल्याक
आमी साद घालचो...

संवसाराचीं सगळी मळां
खोदूळ जाल्यां, खोदूळ जाल्यां...



आमी खूब किर्दे पळयलां

आमी खूब किर्दे पळयलां !
जांचे नांव निशाण लेगीत
हांगा उल्लेना अशें
कितले जाण हे भुंयेर
शबे कांइ्क आयले आनी गेले
तांकाय आमी पळयल्या

आमी खूब किर्दे पळयलां !
म्हज्या प्राणापरस प्रिय अशा
प्रदेशाचीं मुंदराय जातूंत भल्ल्या
तीं सैमरंगी पाचवीचार झाडां कापपी
त्या खाटकांकूय आमी पळयल्यात

आमी खूब किर्दे पळयलां !
देडादिमाचें कदेल सांबाळपा पासत
स्वताचे मायमातेक विकून उडोवन
परधीगो विचार रूजवणा घालपी
त्या पोडमूर राजकारण्याकूय आमी पळयल्यात



आमी खूब किदें पळयलां !
उज्यांत फूंक लेगीत
मारपाचे कश्ट घेनासतना
भाकरी भाजून खावपी त्या
पाडसावेल्या कुवाळ्यांकूय आमी पळयल्यात

आमी खूब किदें पळयलां !
दुर्बळांचे मानेर जूं दवरून
आपलें शेत दुसऱ्याच्या हातान नांगरून घेवन
दुर्बळ समाजाचें रगत घोटपी
त्या समाज पिडप्यांकूय आमी पळयल्यात

आमी खूब किदें पळयलां !
जांच्या पावलांची कुरू लेगीत
केन्ना कोणाक दिश्टी पडलीना
अशे ते परधीगे,
फटकिऱ्या हावेसान इंगळ्यावरी पेटून
इंगळ्यावरीच जांचो गोबोर जाला
तांकाय आमी पळयल्यात

आमी खूब किदें पळयलां !



घर

अथांग
मळबांतल्यान भायर
घमघमून पडपी हो पावस पळयत
हांव एके इमारतीच्या जनेलार उबो आसा...

पावस पळयतां पळयतां
एका पैसुल्या म्हज्या गांवांत बांदिल्लें म्हजें घर
कोणाच्या तरी आदागची वाट पळयत
उबें आसा
ताची म्हाका याद जाता.

घराच्या बरगेल्ल्या वाशांचो करकर
पोंग पडिल्ल्या घराच्या पाळ्यांची पिरगण
म्हज्या कानार पडटा
आनी मळबांतली कुपां विरगळचीं तसो
हांव ल्हव ल्हव विरगळत वता

आनी खिणांत
भर पडट्या पावसांतल्यान चींब भिजत
गजबजिल्ल्या शारांतल्यान वाट काडीत
हांव म्हज्या गांवांत वतां
जंय म्हज्या घराक म्हजी अथरेक लागल्या...



दडकेर दडक येता
मोडार मोडां जाता
आनी मोडाच्या भारान
म्हज्या घराचें पाखेंच कोसळटा
केकाचे कपचे निखळचे तशे
पारेतीचे कपच्यान कपचे सकयल पडटा
म्हज्या दोळ्यां देखत
म्हजे घर जमनीभरवण जाता...

उक्त्या दोळ्यांनी हें पळयताना
म्हज्या काळजांतल्या वेदनांनी
मनाचे कुडक्यान कुडके जाता...!

ल्हव ल्हव पावस वता
काळ्या कुपांनी दाटून आयिल्लें मळब
नितळ जाता
तेन्ना नितळ जाल्ल्या उक्त्या मळबावशीन
दोळे लावन हांव हेच इमारतीच्या जनेलार
उबो आसतां.
असहाय्य गर्भगळीत जावन...



सोशीकतेचो अंत

सभाम्यांनो
आमचे सोशीकतेचो आतां अंत जाला
तुमचें देडादासांचें मकर
थाताकून धरपाक
तुमी पेटयलां तें आगटें
एकदाचें पालोवन वडयात...
आमच्यो भावना
उतरांतल्यान व्यक्त जावपाचो
वेळ आयला...

सभाम्यांनो
आमचे सोशिकतेचो आतां अंत जाला
तुमी पेटयल्ल्या आगट्यांत हुलपता
आमचो लाख मोलाचो फुडार
देखून सांगता, हें आगटें
एकदाचें पालवन वडयात...
नाजाल्यार, हांगा जण एकल्याचे काळीज
एक एक आगटें जातलें
आनी सगळे कडेन उजोच उजो पेट्टलो
हें आगटें पालोवन वडयात
म्हणपाक लेगीत कोण आसचोना...!

सभाम्यांनो
आमचे सोशीकतेचो आतां अंत जाला



खोमीस

समेस्तांनो,
आमी आयच्याच निजाच्या
नितळ खोमसाक आमीच बोते घालप ?
आनी तें बोते पडिल्लें खोमीस
व्हाऱ्यार उडोवन
शेजाऱ्यालें नितळ खोमीस हाडून
ताची लांबाय रुंदाय पळयनासताना
आमी आमच्या आंगार
म्हेळवप ?

आनी तें म्हेळें खोमीस
आमी आमचें आमचें म्हूण
खांकडत सांगप ?

सांगात समेस्तांनो,
हाची बिरमत फुटले बगर
आमकां रावतली व्हय ?



क्रांतीचें गीत

परंपरांच्या
बंद पासांनी
गळो आंदितां
गीत क्रांतीचें
काळजांत रडलां...
उजवाडाचो
सूर्या मळबांत
काळ्या कुपांनी लिपला
आनी हांव काळोख
सांसपीत सांसपीत चल्लां...
हे सूर्या,
म्हाका तुजो लख्ख
उजवाड जाय
म्हजें क्रांतीचें गीत
म्हाका गावंक जाय
केसूर्या,
कुपां फोडून यो भायर
आनी लासून उडय
म्हज्या गळ्याक
अंदल्ले बंदपास
मागीर येवंदी
क्रांतीचें गीत ओंठार



आमी मात

आमी मात
आमच्या आंगावेल्या खोमसाचो
रंग केन्ना बदल्लोच ना

तुमी मात
तुमच्या दोळ्यांची वक्लां
घडी घडी बदल्लीं

त्या वक्लांतल्यान
तुमकां जशे जशे रंग दिसले
तशे तशे तुमी, आमचे रंग थारायले

तुमी आमकां
केन्ना कात बदलपी सोरोप म्हळे
केन्ना रंग बदलपी शेड्डे म्हळे
माळूण म्हळे, काणेर म्हळे
तुमच्या दोळ्यांक दिसलें
तशें तशें तुमी आमकां म्हळें

आमी मात-
आमच्या आंगावेल्या खोमसाचो
रंग केन्नाच बदल्लो ना
तुमी मात
तुमच्या दोळ्यांची वक्लां
घडी घडी बदल्ली...





एका फातराची व्यथा

हांव एक फातर
खूब दीस जाले हांगा आसा
आनीक कांय दिसांनी
हांगा उबे जावपी त्या गिरेस्ताले
इमारतींत म्हजी नेमकी सुवात खंयची
हें म्हाका अजूनय खबर ना...

हे सैमा
तूंच म्हजो रचणार
तुजेरूच म्हजो सगलो भार
तुजे लागीं म्हजें एकूच
हातजोडून मागणें
इमारतीचो बुन्यादी फातर
जावन बसपाचें मात
दुर्भाग्य म्हाका दिवं नाका





कित्याक तर!
हांव पोंदा चिड्डून वतलों
वत, पावस, वारें कांयच लागचेंना
म्हाका कितेंच दिसचेना
म्हजे फाटीर एकार
एक म्हजे सगळेभाव
उबे रावतले
हांव पोंदा घुसमट्टलों
हांव कोणाक दिसचोना
म्हजी व्यथाय कोणाक कळचीना
देखून रचणारा
म्हाका ते इमारतीच्या बुन्यादीचो
फातर जावन बसपाचें मात
दुर्भाग्य दिवं नाका...!



परतून फुट्टलो कोंब

ग्रातकुतल्यां कम्पाचें नाटक करून
ते बेनुल्लेंन त्या प्काम्प्राचें
सगळें रगत घोटून वडयलें
आनी आतां तो पाल्लेना फुल्लना
फळना जाला

केन्ना ताचे सावळेपोंदा
तर केन्ना ताच्या सांवटापोंदा
वाडिल्ल्या आमी बाळकांनी
तेन्नाच ताका शिटकयल्लें
पूण तेन्ना ताका ती बेनुल्ल
मोरपाखी मेनका कशी दिसली
तो कोणाचेंच आयकलोना

बेनल्ल ताचे जिणेंत
चरतें कशी चरत गेली
नकळटना पाळामुळां बड्डेलीं
गात्रां गात्रां सदळ जालीं



आनी आतां
आमच्याच दोळ्यांमुखार
ताच्या उरिल्ल्या सांगाड्याचे
खांदे कचाकच मोडून पडूंक लागल्यात
आतां ताचें आमकां
सांवटूय ना आनी सावळीय ना जाल्या

पूण आमकां
अजुनय शंभर टक्के विश्वास आसा
ताच्या मुळांक परतून फुट्टलो कोंब
घसघसून वत्तलीं पावसाचीं कुपां
आनी मातयेंभरवण जाल्ल्या
म्हारुखाच्या मुळापोंदा
जाल्लें सगळें रेंबकोंड
वतलें व्हांवून, वतलें व्हावून...





प्रवासांत

हे वाटेच्या प्रवासांत
कसलीं मोंडणां हुरचीं पडत
कसली वजीं पेलचीं पडत
कळना म्हाका कळना म्हाका

हे वाटेच्या प्रवासांत
नव्या हावेसांच्या सपनांचीं
सोपणां चडटना
कसली सुखां सांडचीं पडत
कसली गीतां गिळचीं पडत
कोण जाणा कोण जाणा

कृत्रीम जीणेचे नवे फास्केंत
बीयां म्हर्जी किल्लयतना
मनीसपणाचो सूर म्हाका
मेळत काय...!





चान्न्याच्यो कविता भेटल्योचना

हालीसरा
म्हाका चान्न्याच्यो कविता भेटल्योच ना
पाचव्याचार झाडांच्यो
मळबांत उडटल्या
संवण्या भिऱ्यांच्योय
कविता भेटल्योच ना...!
म्हाका कविता भेटल्यो
कवळ्या पोरांक हांडीर मारून
भीक मागत फुटपाथार भोंवपी
अनाथ मातांच्यो
कोयराच्या बल्लांतलें शीत पुंजोवपी
पोरांच्या कंवळ्या मनाच्यो
आनी खिणां पडिल्ल्या
तांच्या काळजाच्या व्यथांच्यो
म्हाका कविता भेटल्यो
अनाथाश्रमांत वाडटल्या
निश्पाप बालिकांचेर केल्या आगळिकांच्यो
ताणी मारिल्या हुयेलींच्यो
म्हाका कविता भेटल्यो
अन्यायाच्यो अत्त्याचारांच्यो
रखरखीत उज्याच्यो
देखून हो असो
उतरा उतरांतल्यान हुलोप पेट्टा...!





झाडांनो पेडांनो

हे झाडांनो पेडांनो
अशी कित्याक गयल्यांत पोनी
वर्सां वर्सांनी आयलां देखून
तुमी म्हाका वळखनात?

कित्याक कडकडटात
कित्याक थरथरतात
उलयात काळीज उक्तें करून
असलो कसलो मोनेळ पडला तुमचेर?

हांव तुमचोच
तुमच्याच वाऱ्यान वाडला हांव
परिस्थितीचो जावन बळी
जियेंव खंयूय बंदिस्त थळीं
पूण तुमच्याच पानांफुलांचो परमळ
व्हांवता म्हज्या काळजांत सदां

झाडांक
म्हज्या काळजाचो कळवळो
आनी बोंबलेच्या देठाची भास कळ्ळी
आनी झंजरून पानां
जागल्यो तांच्यो भावना
आनी मुळ्मुळू रडूंक लागलीं
कोमऱ्या कोमऱ्यांतल्यान





कोणा एका बिल्डराच्या
खरवतीची दात्रां तांच्या सपनांत येवन
तांकां खांवक सोदतालीं
वर्सांसंकीचो इतिहास आनी
अणभव पचयत
अथांग मळबाचो थांग घेत
उबीं आशिल्लीं झाडां
आपले वंशावळीच्या हुस्क्यान
पयलेच खेपे कडकडटालीं, थरथरतालीं
दोळ्यांतल्यान दुखां गळयतालीं...

हे झाडांनो पेडांनो
तुमी म्हाका प्राण दिला
तुमीच म्हाका श्वास दिला
तुमच्यो वेदना म्हाका असह्य जाल्या
हांव गर्भगळीत जालां
ह्या सांवारांत
सगळ्यांच्याच अस्तीत्वाचो
प्रश्न जाला
हे झाडांनो हांव कितें करूं...?





म्हज्या गांवां

शबै शबै नाचता
ऋतू वसंत म्हज्या गांवां
वाऱ्याच्या खातकुतल्यांनी
शिरशिरता पानां
आनी झडटा फुलांफळां

पोरन्या यार्दीची सुकणी जावन
उडटात राना वना
काण्णां -चुत्रा घालतात साद
जागतात भुरगेपणां...





धोल

हांव म्हळ्यार
शिगम्यांतलो धोल कसो
वाजयन दिसता ताणें
तोणी माएपाचो
कोणेय कोणाच्याय
गळ्यांत लकोवपाचो

वाजोवन वाजोवन
चामडें म्हजें पातळ जालां
कोणूय येयात कोणूय वाजयात
म्हजो आतां आवाजूच बंद जाला !



आमी हे अशे

आमी कशें...!
हें आमी केन्ना [illegible]
पुण आयज तें सांगपाक [illegible]
देखून सांगता
आमी हे अशे मुंबरा पोंदचे इंगळे कशें
फूक मारता तेन्ना तेन्ना पेटपाचे
आमी केन्ना पेटल्लना अशें जाल्लेंचना
फूक मारपाची तितली फुरसत
आमी पेटलेंच...
आमच्या उज्यांत
केन्ना कोणें हात भाजून घेतल्यात
केन्ना कोणें पांय भाजून घेतल्यात
केन्ना केन्ना कोणें
भाकऱ्योय भाजून खाल्ल्यात
आमी हे अशे
मुंबरा पोंदचे इंगळे कशें
फूक मारता तेन्ना तेन्ना पेटपाचे





होळी

तुमी नाल्ल फोडूक येतले म्हणून
इतलीं वर्सां आमी झुजयली होळी
गळ्यांत घालून आमीच बडयले धोल
आनी होळयेच्या नांवान
कांडली शबै शबै

तुमी नाल्ल फोडूंक येतले म्हणून
कोणा आलवातिणीची
कोणा देवगतेची हाडां
आमीच पुरली होळयेच्या नेमांत
गड्यांच्या नांवान
आमीच मस्तीली माती
आनी तुमी बल्कांवार बसून
फकत रंग उधळ्ळे

आतां तशें घडचेंना
आमची नवी पिळगी होळी झुजोवची ना
गळ्यांत धोलकें घालची ना
तांकां रंग उधळपाचो आसा
रंग उधळपाचो आसा...



काळखाचें राज्य

पेट्टे दिवे पालवताना
सोंपत वता उजवाड
काळखाचें राज्य घेवन
नाचता हांगा
म्हारू आनी दैवचार

पेट्टे दिवे पालवताना
नागवण्यांची भरलीं भांडां
फटकिऱ्यांचेंच सादर्ले हांगा
विश्वासाचो वचून बळी
भंगली आमची सपनां

पेट्टे दिवे पालवताना
उजवाडान सोडलो प्राण
काळखाचेर येवन भार
अन्यायाच्या उज्यान
ओकली हांगा केणां

काळखाच्या ह्या राज्यांत
कोण पेट्टा, कोण जळटा
पावली मारता थंय थंय
जित्यांचीच सरणां पेट्टा



कोंकोच कों

कोंकोच कों कोंकोच को
कोंबडी फकत कोंकारता
कोणूय हात मारीत देखून
कशीच तार्ती घालीना
कोंकोच कों कोंकोच कों...

तांतया आशेन
आंवडे घोटीत
कितले कोंबे रावल्या राखत
पूण कोंबडी कशीच बदना
तार्ती कशीच घालीना
कोंब्याक तार्ती मेळना
तरीय कोंबे हालना
कोंकोच कों कोंकोच कों
कोंबडी फकत कोंकारता



वाट

उदेतल्या
सूर्याकडेन वचपाची
काट्या कुट्यांची
ही वाट म्हज्या प्रवासाची
चलता हांव
चलता हांव...

मदींच मोडणा
मदींच चडणां
जीण खर्शेता
खिणा खिणा

तरी पूण
ही वाट म्हाका
चलपाकूच जाय

कित्याक?
उदेंतेवसल्यान
पवित्र सूर्याचो साद
म्हाका हांगा सावनच
आयकूंक येता.



बंदखण

मोगा,
हे बंदखणीत
आतां हांव
घुसमटूंक लागला...!
दोळ्यांमुखार
व्हांवता दर्या
पेंवन दिसता
पेवूंक मेळना
आंगणात मोगा
खेळटा फुलां
हुंगन दिसता
हुंगूंक मेळना
तुजे म्हजे
भोंवतणी
सगळे वटेन
बांदल्या वंय
मोगा, म्हज्या
तुज्यो म्हज्यो
संवसार दिको
उक्त्यो आसा धाय
देखून मोगा
आतां मात
बंदखणीच्यो सरयो ह्यो
ल्हव ल्हव तोडूंक जाय

हांगा चल्लां कितें?

हांगा खरें कितें फट कितें
कांयच कळना
हांगा चल्लां कितें?
कालचे ते आदर्श
आनी आयज हे आपी
दोनायमदें उजो वचना
उजो वचना...
हांगा खरें कितें फट कितें
कांयच कळना...
कोण खरो कोण धोंगी
म्हात्म्याची घालून रुपडीं
कांयच कळना
कसल्यो निश्ठा कसलीं तत्वां
सगळी वेव्हाराचींच लक्षणां
हांगा खरें कितें फट कितें
कांयच कळना...
आतां मारूं उलो
कोणेय कितलेय नेटान
कोणाचेरच भरवंसो ना
देखून जाप दिवपाचेंच
धाडस जाय ना
हांगा खरें कितें फट कितें
कांयच कळना...
हांगा चल्लां कितें?
हांगा चल्लां कितें...?





फुला म्हज्या

पोरसांतल्या
फुला म्हज्या
सांग गो म्हाका
सांग गो म्हाका
तूं कोणा खातीर फुलता?
तूं कोणा खातीर धोलता?
ओंठावयलें म्होंव पळोवन
ल्हेंवत ल्हेंवत
धिट्टी घालूंक पाखो येता
पिंगसो पिंगसो घारसो
देखून फुला
राखूंक तुका
नदरांचें इल्लें करून
गोयण्या आड
उबो आसा हांव



निसू माती

पाड पडिल्ली
म्हज्या पोरसांतली
ही मातीच निसू...

कितलीं झाडां
रोयलीं ह्या पोरसांत हांवें
एकूय झाड फुलेंना
एकूय झाड तगलेंना

दर मिर्गाक
ह्या पोरसांत हांव
झाडां रोयतां
पूण दुसरो मीर्ग
येवचे आदींच
रोयिल्लीं झाडां बावतात

पाड पडिल्ली
म्हज्या पोरसांतली
ही मातीच निसू

पावसाचें गीत

गायता हांव
गायता हांव
थंड नव्या पावसाचें
गीत हांव...

मळबा मांडार माडल्या कुपां
काळी धवीं रंगशी रूपां
शिडशिडून झडूं दी आतां
झाडां पेडांक लागल्यां तान

योरे पावसा योरे पावसा
झाडां झाडांर नवे घोटेर
तातूंत गायतात संवणी मधूर
उमेदीची नवशीं गीतां

झाडां आंगार वारो खेळटा
सळसळ वाजयत घुंगरा
पानांपानांतल्यान येता गाज
योरे पावसा योरे पावसा

पुरुमेताचीं भरून भांडां
संवणी रावल्यांत फुलोवन पाखां
झड रे पावसा झड रे बेगीन
करूंक सगळी थंड मना



तेन्ना येतालीं संवणी हजार

हांगा झाडांचेर
तेन्ना येतालीं संवणी हजार
आनी लायतालीं मूर म्हांवाळ
सांज सकाळ सांज सकाळ
घरघर माकनांना
भिरांत सपनां
झाडांनी झडयलीं पानान पानां
आनी सगळीं बोडकी रानां
बोडकी रानां
हांगा झाडांचेर
तेन्ना येतालीं संवणी हजार
संवणी हजार...

आतां झाडां ना
संवणी ना
देखून संवण्या सूर ना
कळना आतां वसंत खंयचो
शरद खंयचो, हेमंत खंयचो
सगळो आतां बोडको
शिशीर शिशीर...
हांगा झाडांचेर
तेन्ना येतालीं संवणी हजार...





जिणेचो अर्थ

न्हांवपाखातीर टब
कदेल कसो कुमांव
मनशांचे उबेचेरूच
सगळीं उत्कीं दारां
दर कामाक नोकर चाकर
तांचीय बटनांचेरूच कामां
कसली कसलीं म्हूण सांगू !
गिरेस्तालीं हीं सुखां
जिणेचो अर्थ
कोणाक कळूंकच दिना



हीं भुरगीं कोणाली?

कोयराच्या बल्लांत
गोटे वेंचपी हीं कार्चीकुर्ची
भुरगीं कोणालीं?

कोण तांचो बापूय
कोण तांची आवय
खंय तांचो गांव
ह्या साबार प्रस्नांच्यो
जापो सोदतना
'सारे जहाँ से अच्छा हिंदुस्थां हमारा'
ह्या गीताचे बेसूर गाज
म्हज्या कानार आदळूंक लागतात
हांव अस्वस्थ जातां
आनी कोयराच्या बल्लांत
हांव सोदता
तांच्या अस्तित्वाचें निशाण...!

पेडांतलो पिंपळ

म्हज्या गांवच्या पिंपळा पेडार
कोण तकली बागयता
कोण वात पेटयता
कोण कापूर जळयता
पूण, पेडाच्या वेटाळ्यांत
पाळा अंदिल्लो बाबडो पिपळ मात
धतरिच्या खोलांत पाळामुळां फांकारून
फाटल्या साबार वर्सांसावन
कष्टत उबो आसा
तो पानापानांतल्यान रडत आसा
पूण कळना कोणाक व्यथा ताची
दिसना कोणाक दुकां ताचीं
म्हजेंय तशेंच जालां
रंवथो जाल्ल्या ह्या गच्च शारांत
पांजऱ्यांतलो पिसो कीर कसो
उक्त्या मळबांत झोंपय मारूंक
उडूंक सोदतां वयर वयर
पूण दार उगडना
पांजऱ्यांत रावून रावून जड जाल्ली
पाखांय हालना
पेडांतल्या पिपळाचें दुखणें
आनी म्हजे दुखणें
एक जालां, एक जालां...



दुकूच दूक

केन्ना केन्ना
भर वसंतातूय
म्हज्या मनाचो शिशीर झडटा
आनी
संवसाराचे साणीर
हळदीचें कूट कशें
म्हज्या दुकाचें मूळ
गंद कशें झरत रावता
तेन्ना
आठूय पार रुखावांगडा
प्रणयरंग उधळपी
वाऱ्याच्या दोळ्यांतल्यानय
अळंग दुकांची धार व्हांवता
आनी रुखाच्या पाना पानांत
संवण्याच्या सुरासुरांत
दुकूच दिसता...



मुक्त कर

अज्ञानाच्या काळखांतल्यान
प्रवेश करीत उजवाडाची
वाट सोदीत चलताना
पांयांक लागिल्ल्या काट्यांच्यो
वेदना असह्य जातात
हे उजवाडाच्या देवा
ह्या काळखाचो पड्डो फोड
नाजाल्यार खंयतरी चीर घाल
तातल्यान झिरपून येवंदी
एकदांचें सूर्याचें केण
आनी कसोयतरी जावंदी
काळखाचो गोबर

हे उजवाडाच्या देवा
तुजे वाटेक दोळे थिरावन
हांव घुसमट्टां
ह्या अज्ञानाच्या काळखांतल्यान
म्हाका मुक्त कर

हांसो

पंचनक्षत्री हॉटेलाच्या त्या
भव्य दिव्य दरवाज्यांतल्यान
भितर सरता तेन्ना
लग्नाच्या पाटव्यांनी लखलखपणान
फाटीर घोलपी लांब लांब केसांच्यो
गोऱ्यो गोमट्यो अस्तुऱ्यो
ओंठार म्हौंवो हांसो फुलयत
सगळ्यांकूच येवकार दितात
तेन्ना
कोणाल्या काळजांतलो पिंपळ पेट्टा
कोणाल्या मनांतलो वसंत मळमळटा
कोणाल्यो वखवखिल्ल्यो नदरे
वस्त्रहरण करपाक तांच्या
आंगार झुडून वतात
तरी पूण त्यो हांसत आसता
हांसप हेंच तांचे काम आसता!





तांच्याय काळजांत
दर्यायेदें दुख्ख आसता
कोणालो बापूय घरांत
मरणाचे धडेर आसा
कोणालो अर्धांग जाल्लो
घोव हातरुणार तळमळटा
कोणाल्या घोवान कोणाक
घटस्फोटाची धमकी दिल्या
तरी पूण ह्या दरवट्यार
तांका हांसचेंच पडटा
हांसप हेंच तांचे काम आसता...!

हांसो म्हळ्यार खोसयेचें उत्स्फूर्त दर्शन
ताचें जाता व्यापारीकरण
तेन्ना दर्यायेदें दुख्ख लेगीत
गिळून हासचें पडटा
वेंतभर पोटाखातीर
हांसप हेंच तांचे काम आसता...!



कोण केन्ना

कोण केन्ना
कसल्या जळांत कसो पेंवत
सांगूं येना...

कोण केन्ना
कसलो रेबो उस्तीत
सांगू येना...

कोण केन्ना
त्याच रेंबकणांतल्यान
कसलें साळीक फुलयत
सांगू येना...!



आमी पालोवंक नासले

आमी
पालवले म्हूण समजून
तुमी आमकां माड्डीत गेले
आनी फाटल्यान
आमी पेटत रावले
पेटत रावले

आमी पालोवंक नासले
गोबरा पोंदच्यो किटी जावन
आमी राविल्ले
कोणाचेतरी फुंकेची
वाट पळयत...!



आतां मात्शे गायात

गायात संवण्यानो
गायात सुकण्यानो
गायात वझऱ्यांनो
आतां मात्शे गायात

म्हजे ल्हेंवे ल्हेंवेंत
भरसूदीं तुमचे सूर
आनी श्रावणांतल्या पावसांत
भिजचो तसो
जावंदी ओलो चींब चींब

परिस्थितीचो जावन बळी
गांव माती जाता पोरकी
नव्या हावेसाची फुलोवन सपनां
शाराची वाट चलतना
तुमचें मोनेंपण म्हाका
असह्य जालां...

देखून गायात संवण्यानो
गायात वझऱ्यांनो
आतां मात्शे गायात

ह्या शारांत
झाडां ना, पेडां ना
काण्णा ना, चून्ना ना
तृप्त जावन न्हांवपाखातीर
दोंगरापोंदचे वझरे नात

कामेऱ्यांचीं गीतां आयकूंक
पाचवीचार शेतां ना
माड ना, माडयो ना
आमोरेची नबत आयकूक
देवपणाचीं देवळां नात
तिनसांजची वात पेटोवंक
दाराभायर तुळशीचें पेड ना
पाख्याच्या बुराकांतल्यान
झिरपतलें चंद्रीमाचें चान्ने न्हांवंक
मेकळे थंय मळब ना

देखून गायात संवण्यानो
गायात सुकण्यानो
गायात वझऱ्यांनो
आतां मात्शे गायात
तुमच्या यादींच्या परमळान
चेतनेचे मळे म्हाका फुलोवंक जाय
शेणिल्ल्या मनिसपणाचे सूर
थंय लेगीत आळोवंक जाय!



ताळयो मारच्योच पडटल्यो

आतांमेरेन
निबर जमनीत नेमां मारून
माटोव घालपाचें काम आमी केलें
आनी आयत्या माटवांत
तुमी जायतशी भेंडा हालोवन नाचले
आमी फक्त ताळयो मारल्यो
आतां तशें घडचेंना
आतां माटव तुमी घालपाचो
नाचपाक आमची भेंडा शिवशिवल्यांत
तुमकां ताळयो मारच्योच पडटल्यो



लेबल नाशिले बुशकोट

बाजारांतल्या
त्या दुकानार
कितलेशेच दीस जाले
पिंजून पिंजना अशे घट्ट
बुशकोट हुमकळटात

कसलेंच लेबल नाशिल्ले
धुल्लान माखिल्लें
आनी फेर्रय गेल्ले

कितले लोक बाजारांत
आयले आनी गेले
हे बुशकोट कोणाचेच
नदरेंत भरना

कितलीय बरी वस्त जांव
आयच्या काळांत
जातीचे लेबल नाशिले
कसलेच वस्तीक
बाजारांत केन्ना मोलच नासता
ह्या बुशकोटाचेंय तशेंच जालां.





कोंब्या खा

कोंब्या, खा...
जिवेक विचारून विचारून
मागून घेवन खा

आयज तुका
कोणूच ना म्हणचोना
फाल्यांचे सांगू येना...!
देखून आयजूच खा

आयज दसरो
तुज्या मानाचो दीस
सगळी पुजा
आयजूच करून घे





आंकवार चेडूं

एका आंकवार चेडवान
आतांच मोग केला
भरदनपरां भरल्या घरांतल्यान
चेडूं हुंबरो हुपून गेलें

काल्या जात्रा फेस्तांनी
जायतशें मिरयमिरयलें
चेडवान किरय किरयलें

चेडूं वयान वाडिल्लें
हड्डयार थाना सोबयल्लें
चेडू कुसय सुजयल्लें

चेडूं कोणाक वळखना
आवय बापायक बदना
चेडूं हाताक गावना

चेडवाक आतां मिरंवदी
जाय तशें किरंवदी
जाय तेन्ना येवंदी
चेडवाक परिणामाक रडूं दीं





तांचीच संख्या चड

हे मुखावयले
राशींतले नाल्ल तितले खंयचे
हें तिजून काडप
आतां खूबच कठीण जालां
कित्याक तर !
हे राशींत नाल्लांपरस
वांज, मोडकांचीच
संख्या चड जाल्या





आमच्यो कविता तसल्यो न्हय...

आमच्यो कविता तसल्यो न्हय...
व्हिस्केचो पेग मारून
फ्लॅटातल्या स्पंज्याच्या मोवमोव
कुलचावांचेर बसून
सिगाराचो धुंवर सोडीत सोडीत
मळबांतल्यान उडून वचपी
कल्पनेतल्या संवण्या भिऱ्यांच्यो
आमच्यो कविता न्हय...
पाचवेंचार शेंत जाणी केन्ना
दोळ्यांनी पळयलेंच ना
त्या शेतांतल्या चकचयाळ
चिखलांतल्यान साळकां फुलोवपाचीं
फकत सपना रंगोवपी
तांच्या कवितांवरीय
आमच्यो कविता न्हय...
आमच्यो कविता-
पिळग्यान पिळग्यासावन
वेगवेगळ्या बंदपासांनी
बंदिस्त कुडीत तळमळून
घुस्मटमार जावन काळजार फार मारून
काळीज रक्तबंबाळ करून सोडपी
आर्मांतल्या गुळयांवरी,
देखून आमच्यो कविता
तोखेवपाचेय भानगडींत कोण पडना!



धरण जेन्ना फुटलें

दुखांनी तुंबिल्लो हें धरण
जेन्ना फुगार जावन फुटल्लें
तेन्ना
उदकावरी व्हांवपी दुकांचे लोट
खंयच्यानूय व्हांवतले
आनी त्या व्हावत्या लोटावांगडा
नाल्लूय वतले
वांजांय वतलीं
ओलें सुकें
सगळें कितें
व्हांवून वतलें
व्हांवून वतलें



घणचे कटर घण

घणचे कटर घण
घणचे कटर घण
पयस पयस नदरे पैलाडीं
भुमीचो उत्सव जाता रे
गंदेलाची मारीत पावली
ऋतू वसंत सर्वय नाचतारे

आनी
मनीसपणाचो सूर नाशिल्ल्या
बंद दारांच्या गच्च घरांत
हांव दळदिरो जळाविणे नुस्तें कसो
तळमळटां रें...
पयस पयस नदरे पैलाडीं
भुमीचो उत्सव जाता रे





सूर्य

मळबांतल्या
सूर्याचो उजवाड दिसान दीस
उणो जायत चल्ला
देखून,
धर्तरिवेलो सूर्य जावन
आतां म्हाकाच पेटचो पडला.





शेणलो हांव

शांत तिळसांजेर
निळ्या मळबाक फुटलीं पाखां
रंगरंग धर्तरीर
अशा वेळार
आमोरेचे रंग न्हांयत
तुज्या दोळ्यांत बुडलो हांव
तुज्या मनात रंगलो हांव
रंगाचो रंग जावन
तुज्या काळजांत शेणलो हांव...!





ल्हारां

ल्हारां ल्हारां नाचता
आमकां पळोवन हांसता
मनांतलें गुपीत हाडून
देगेर येवन सांगता
तेन्ना म्हज्या दोळ्यांतलो चंद्र
मुमुरखोच हांसता





रात

मळबा रात
निळनिळटा
लाख लाख
फुटलीं मुखां

पानां पानांर
रंग रूप,
मळबा निळ्या
लागली धार

पोसो भरून
पिवची आतां
चान्याची
शितळ धार





उजवाडाचें दार

थेंब थेंब तळें जालें
तशें म्हजें
उतर उतर ब्रह्म जालें
नकळटना
उजवाडाचें दार म्हाका
उक्तें जालें





वड म्हणटा

सगळ्यां मदें व्हडलो असो
एकलोच रे उरलां हांव
वर्सां संखीच्यो यादी आतां
एक एक गुंथतां हांव

केंस म्हजे पिकले आनी
शिरंतरां सदळ जालीं
दीस रात पोंदा म्हज्या
लजेविणें बुरशेपणां
सदां उठून तीच तीच
परत परत कितें म्हुण पळोंव ?

नाका सायबा म्हातारपण
विटली पुता जीण म्हजी
एक एक बावता पान
सांगू कोणाक म्हजें पुराण

सांगले म्हूण कळचेना
कोणाकूच पटचेना
देखून मोडा येवन चल
धतरि वेंगात दिवन चल





इंगळो

रान्नीतलो इंगळो हांव
पेट पेट पेटलों,
आनी
पेट्टां पेट्टांच म्हजोच
गोबर जालो...





तांच्याय कळ्यांची फुलतलीं फुलां

ह्या झाडांचे
आसू विंगड रंग
आसू विंगड ढंग
तांच्याय कळ्यांची फुलतलीं
एकदीस फुलां...

आनी,
गंद फुलांनी झाडां हांसतली
झाडां गायतली, झाडां नाचतलीं
एकेच मातयेंत झाडां जियेतलीं...
झाडां एकेच मातयेतलीं !

ह्या झाडांचे आसूं विंगड रंग
आसूं विंगड ढंग...





भुरगें

मुक्त मळब्यांत उडचें भंवचें
तशें बाये तुजें जिणें
खिणांत हांसचें खिणांत रडचें
पिसोळ्याचें मन कशें
फुलांफुलांर नाचचें

वत येता पावस वता
सुकती येता भरती वता
ताका नारे ताचो थांग
तुजें जिणें सुंदर बाये
अशें कशें तें सांग





दडकांचो पावस

मातयेच्या गर्भाचो
घेवन गंद
दडका दडकांनी
आयलो पावस

घुडूम घुडूम
गडगड तटतट
जोगलां पेटयत
कांडीत शबै
दडका दडकांचो
पडटा पावस

खर दुवाळ्यांची
भिजून गेली
धर्तर सगळी
चींब ओली ओली
दडका दडकांच्या पावसान

वया वयली पोरां कशी
झाडा मस्तेलीं
शिरशिरावन पानां
वाऱ्या वांगडा आकुळ्ळीं पिकुळ्ळीं
दडका दडकांचो पडलो पावस





उजवाडाचे मळे

नक्षत्रांच्या थेंब्यांचे
दोळ्यांक लागून दुवाळे
मन भोंवता रात रात
सोदीत उजवाडाचे मळे





गर्भदुखां

आयज
ह्या झाडाची पानां
हालना, धोलना

कित्याक म्हूण कोण जाणा !
ह्या झाडाची पानां
हांसना खेळना

ह्या झाडचें गर्भ दुख किदें ?
हेंच म्हाका कळना

पूण
खिन्न उबें झाड देखतना
म्हज्या मनाक भोगता
त्या झाडाच्यो गर्भ यातना!
आनी झाड जावन
मन म्हजेंय रडटा...
ह्या खिणा म्हजें गर्भदुख
कोणाक कळना...





कंप्युटर

यंत्रमागची
जनेलां उन्नी करपी
ह्या कंप्युटरान
म्हज्या आत्मविश्वासाक
मात पेटयला सुरंग
जळून जळून जाल्ल्या गोबरान
सोदूनय सांपडना
इल्लो लेगीत ताचो अंश
देखून
बेदुर्णें चार अशें कोर्णेय
कितलेंय आड्डून सांगलें
तरीय कोणाक खरें दिसना
देखून गुलाम जावन म्हाका
कंप्युटराकडेनूच पळोवचें पडटा...
तेन्ना म्हाका उगडास जाता
पुराणांतल्या भस्मासुराचे
जितेजीवे काणयेचो
आनी स्वताच्याच माथ्यार हात दवरून
स्वताचोच गोबर करपी भस्मासूर
म्हज्या दोळ्यांमुखार नाचूंक लागता
कंप्युटराच्या रुपान...!





तांचें सगळें वेगळें

तांचें मळब वेगळें
धर्तरी वेगळी
सूर्य, चंद्र, नक्षत्रां
सगळें वेगळें
तांचे सण, परबो
सगळ्योच वेगळ्यो
मागीर आमच्यो व्यथा
तांकां कशो कळटल्यो...!





वेळ कोणाक आसा?

सैमरंगी
रुखावळींतली
सुंदराय सोदपाक
आयज वेळ कोणाक आसा?
जंय वेंतभर पोट भरतना
सगळें जीवीत खशेंता...



